# बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी समाज

## (CULTURAL STUDY ON BETUL AND VELIM KHARVI)

A Dissertation for

Course Code and Course Title: KON-650

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Master's Degree

MA in Konkani

by

**Mr. Sharad Shivaji Chavan**

Seat Number: 22P0180027

ABC ID: 510462708076

PRN: 201904064

Under the Supervision of

**Ms. Kripali Naik**

Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

**Goa University**

**Date: 15 April 2024**

Examined by:

Seal of the School

# DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, ‘’**बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी समाज (Cultural study of Betul and Velim Kharvi)”** is based on the results of investigations carried out by me in the Konkani Discipline at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Miss Kripali Naik and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations/ experimental or other findings given in the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Sharad Shivaji Chavan

Roll Number: 22P0180027

Date:

Place: Goa University

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report **''बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारातंलो खारवी समाज (Cultural study of Betul and Velim Kharvi)''** is a bonafide work carried out **Mr.** Sharad Shivaji Chavan under my supervision in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of **Master of Arts** in the Discipline Konkani at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University.

Miss Kripali Naik

Discipline of Konkani, SGSLL

Date:

Prof. Anuradha Wagle

Dean, Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Date:

Place: Goa University

# उपकार

**"बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी समाज"** हो प्रबंध सादर करतना म्हाकां मना काळजा सावन खोस भोगता. हो प्रबंध पुराय करपाक म्हाकां सहाय्यक प्राध्यापक कृपाली नायक मार्गदर्शक म्हूण लाभली. तांचें म्हाका भोव मोलादीक मार्गदर्शन मेळ्ळें म्हूण हांव तांचें काळजासावन उपकार आठयतां. तांणी म्हाकां गरज लागता तेन्ना आपलो वेळ दिलो तशेंच प्रत्यक्षान हया समाजा कडेन मेळपाक आनी अभ्यासाच्या संदर्भांत म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो दिलयो. तांच्या उतेजनाक लागून हो सोद वावर हांव पुराय करूंक पावलों देखून हांव काळजा सावन तांचे उपकार मानतां.

हो सोद वावर पुराय करपाक म्हाका आदार दिल्या खातीर हांव विभागाच्या शिक्षकांचो आदर व्यक्त करता. तांणी वेळार काळार म्हाका मार्गदर्शक आनी कांय म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो केल्यो हांव तांचेय उपकार मानता. तशेंच म्हजे आदले शिक्षक डेनीस वाझ आनी सेनसीको डायस हाच्यांनी समाजाचेर कशे तरेन अभ्यास जावं येता. हाचेर मार्गदर्शन केल्ले खातीर हांव तांचोय उपकारी आसां.

काळजासावन आनी खरेपणान उपकार मानूंक जाय अशें दिसता ते म्हळ्यार म्हाका वेळचे वेळार उमेद, स्फूर्त आनी आदार दिवपी म्हजो आजो श्रीरंग चव्हाण बापूय शिवाजी चव्हाण आनी आवय शिल्पा चव्हाण तशेंच म्हजो काका सुरेश चव्हाण काकी सुमन चव्हाण आनी म्हज्यो भयणी शितल पवार, सिमरण चव्हाण तशेंच म्हजे लागींचे इश्ट आनी इश्टीणी. तशेच ज्या लोकांचो म्हाका प्रत्यक्ष आनी

अप्रत्यक्ष रूपान आदार घेवचो पडलो त्या सगळ्यांचे हांव मना काळजासावन उपकार आठयतां.

ह्या प्रबंधा संदर्भांत म्हाका चडांत चड समाजा विशीं म्हायती एकठांय करपाक आदार दिल्ले खातीर हांव सुदाकर जोशी आनी दिनू जोशी ह्या दोनूय खारवी समाजांतल्या हांव उपकारात आसां. तशेंच सोद प्रबंधा खातीर उपयुक्त अशी म्हायती दिवपी नितेश गांवकार, विनय तारी,रवि जाधव, विकास जाधव, सुसमीशा जोशी, वीना कारदोजो हांचेय हांव उपकार आठयतां. पंचायतीचे सदस्य, सेक्रटरी हांचो उपकारी.

म्हज्या ह्या प्रबंधाक उपेगाक पडपी जायती पुस्तकां, नेमाळी, दिसाळी आदी संदर्भ साहित्य वापरूंक दिवपी गोवा कोंकणी अकादेमी (पणजी), गोंय विश्वविद्यालय ग्रंथालय (ताळगांव गोंय), कृष्णदास शामा गोवा स्टेट सेंट्रल ग्रंथालय (पणजी गोंय), डिस्ट्रीक ग्रंथालय (नावेली गोंय). ह्या संस्थांची ग्रंथालयां, तांचे अधिकारी आनी कर्मचारी ह्या सगळ्यांचे खूब उपकारी जाल्यात. ह्या सगळ्यांच्या मार्गदर्शनाचो फायदो म्हाका फुडाराकूय जातलो अशींच आस्त दवरून परत एकदां हांव सगळ्यांक देव बरें करूं म्हणटा.

# प्रस्तावना

ही संशोधन प्रबंधीका, बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी समाजाचेर उजवाड घालता. ह्या समाजाची उलोवपाची भाशा शैली किते, तें कशे जगतात, तांचो वेवसाय कितें, तें गोंयांत कशे आयलें, तांच्यों चाली- रिती कितें आदी. हें ह्या प्रबंदीकेंत माडलांत. ही संशोधन प्रंबधीका पांच प्रकरणांनी वांटला. ह्या पांच प्रकरणांची उडटी वळख सकयल दिल्या.

पयल्या प्रकरणांत, ह्या संशोधनाची पुराय वळख करून दिल्या. जातूंत अभ्यासकात पुराय तरेन हो विशय निवडपा फाटलो हेतू स्पश्ट केलात. तशेंच प्रंबदीका करतना आयिल्यो समस्या, विशयाचो आवाठ कितले मेरेंन आसतलो आनी पुराय साहित्य नियाळ ह्या विशयाचेर मांडला. तशेंच ह्या विशयाचेर कितें साहित्य उपलब्द आसा ताचोय उल्लेख केला. दुसऱ्या प्रकरणांत बेतुल आनी वेळ्ळी वाठाराचीं भुगोलीक आनी संस्कृतीक वळख माडल्या. जातूंत बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांची वळख दिवून तांची समाज वेवस्था आनी तांच्या दोनूय वाठारांचेर आनी खारवी लोक संख्येचेर भर दिल्या. तिसऱ्या प्रकरणांत बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत खारवी समाजाच्या लोकसंस्कृतायेचेर भर दिल्या. चवथ्या प्रकरणांत खारवी समाजाचीं भाशाशैली आनी उतरावळीचीं फोडणी केल्या. तातूंत वेग-वेगळी उतरावळ माडल्या. आवतांची उतरावळ, नुस्तयांची उतरावळ, वेवसायीक उतरावळ आनी हेर उतरांचेर अभ्यास केलां. जाल्यार पांचव्या प्रकरणांत प्रबंधिकेचो निश्कर्श मांडला. हातूंत सोदवावर करतना मेळ्ळिल्ली ती निरिक्षणां मांडल्यात.

# सारांश

गोंयांत आमका जायत्या वाठांराचेर अभ्यास जालो दिश्टी पडटा. पूण बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांचेर आयज मेरेन अभ्यास जाल्लो ना हाका लागून हों विशय संशोधन खातीर घेतला. खारवी समाज हो गोंयच्या समाज रचनेचो एक म्हत्वाचो भाग. गोंयचीं अन्न संस्कृती वेगळी तयार जावपाक हें समाजाचो व्हड वांटो आसा. समाजाचेर आयज मेरेन कोणें अभ्यास केलो दिश्टी पडणा. हाका लागून हो विशय संशोधनाखातिर घेतलों. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी समाजाची भाघ हो दक्षीण गोंयातल्या हेर वाठारांतल्या तशेंच हेर समाजा परस वेगळी कशी ते सोदचे खातीर हो प्रवांह.

ह्या पुराय संशोधनात बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्या खारवी समाजाचेर अभ्यास केला. खारवी समाज हो एक असो समाज जो मुखेल प्रवाहांत ना. संशोधन करतना पुराय बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्या खारवी लोकाची वळख माडल्या. तांचे भाशीक आनी समाज संस्कृताय पळेवपाचों यत्न ह्या सोदवावरांत जाला.

# सारगर्भ उतरां

बेतुल, वेळ्ळी, खारवी, समाज

# मांडावळ

**1. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश**

1.1 विशयाची फाटभूंय

1.2 अभ्यासाची उदिश्टा

1.3 प्रबंधिकेची समस्या

1.4 विशेयाचो आवाठ आनी मर्यादा

1.5 अभ्यासाची उपयुत्कताय

1.6 सोद वावराची पदत

1.7 साहित्य नियाळ

**2. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठाराची भुगोलीक आनी संस्कृतीक वळख**

2.1 बेतुल वाठाराची भुगोलीक वळख

2.2 बेतुल वाठाराची लोक संख्या

2.3 बेतुल वाठारांतली समाज वेवस्था

2.4 वेळ्ळी वाठाराची भुगोलीक वळख

2.5 वेळ्ळी वाठाराची लोक संख्या

2.6 वेळ्ळी वाठारांतली समाज वेवस्था

**3. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी समाजाची लोकसंस्कृताय**

3.1 समाजाची वळख

3.2 देव, देवस्पण आनी श्रध्दा

3.3 सणो परबो

3.4 लोकगितां

3.5 लोकनाच

3.6 लोककाण्यो

3.7 लोक अन्नसंस्कृती

3.8 लोक वाद्यां

**4. समाजाची भाशाशैली आनी उतरावळ**

4.1 आवतांची उतरावळ

4.2 नुस्त्यांची उतरावळ

4.3 वेवसायीक उतरावळ

4.4 म्हणी

4.5 हेर उतरावळ

**5. निश्कर्श आनी समारोप**

**6. संदर्भ**

# प्रकरण- 01

1.1 विशयाची फाटभूंय

1.2 अभ्यासाची उदिश्टा

1.3 प्रबंधिकेची समस्या

1.4 विशेयाचो आवाठ आनी मर्यादा

1.5 अभ्यासाची उपयुत्कताय

1.6 सोद वावराची पदत

1.7 साहित्य नियाळ

## 1.1 विशयाची फांटभूंय

“समाज म्हणल्यार एकाच वाठारांत शांतीन रावून, एकेच तरेची भास उलोवपी, एकाच देवाक मानपी, एकेच तरेच्यो विधी, परबो करून एकेच तरेची मानसीकता आनी हेर संस्कृतीक घटक बाळगून जगपी लोकांचो पुंजो म्हणल्यार समाज अशी समाजाची व्याख्या जॅज लिंकन नांवांचे विद्वान दितात ‘’ (भारतीय समाज-चद्रकात केणी). दर एक समाज ह्या संवसारात म्हत्वाचो थारता. दर एक समाजाचीक वेगळी खाशेलपणां पळोवक मेळटा. मागीर ती समाजीक, भुगोलीक, इतिहासीक, राजकीय, संस्कृतीक आदी. समाज तयार जावपाक कितलीशीच वर्सां लागतात हाका लागूण दर एक समाज म्हत्वाचो थारता.

साश्टी केपें तालुक्यात खारवी समाजाचे लोक बाणावली, वार्का तशेंच तारीवाडो, पोस्टवाडो आनी पिरावाडो, बापसोरा, रंगगालिम ह्या गांवांत दिश्टी पडटा. तातूंतलो म्हत्वाचे दोन वाठार म्हण्यार बेतूल आनी वेळ्ळी . ह्या वाठारांतल्या खारवी समाजाचो संस्कृतीक, भुगोलीक, भाशीक तशेंच धार्मीक अभ्यास ह्या प्रबदिकेन करपाचो अभ्यासकाचो यत्न जालो आसा.

गोंयच्या आनी बेतुल वाठारांतल्या खारवी समाजाचेर भाशीक आनी संस्कृतीक नदरेन पयली केन्नाच अभ्यास जावुना हाका लागून ह्या समाचेर अभ्यास जावप गरजेचें अशें दिसता. हें समाजाचेर आमी आयकला पूण हो समाज किते करता? तांचो वेवसाय कसलो? ते कशें तरेन जगतात? हांचेर सगळो अभ्यास ह्या सोद वावरांतल्या जालो. तशेंच ह्या समाजाची लोकसंस्कृताय कितें, तांची वेगळी वेगळी

उतरावळ ह्या पुराय अभ्यासांतल्यान माडप जातले. देखीक आंवताची उतरावळ, नुस्तेमारी उतरावळ, वेवसायीक आनी हेर उतरावळ ह्या अभ्यासांत माडलो.

कांय लोकांची मुलाखत घेतना तांच्या कडेन आयकूक आयले की बेतुल वाठाराचो उगम किटोळ आनी नाकेरी गांवांतल्यान जाला. हांचेर हांव पुराय तरेंन संशोधन करून हो गांव कसो तयार जालो हें पुरावे दिवून ह्या अभ्यास स्पश्ट जाला. तशेंच खारवी समाज कसो आयलो तांचो उगम बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत कसो जालो हांचेर ह्या संशोधनातल्यान अभ्यास जाला.

तशेंच बेतुल वाठारांच्या लोका कडेन उलयतना कळ्ळे खारवी समाजांत कोंकणी आनी मराठी उलयतात. ह्या भाशेचो अभ्यास ह्या अभ्यासांत जाला. ते वाठारांतले कांय लोक ह्या समाजाक गाबीत म्हणटात जाल्यार कांय जाणा खारवी समाज म्हणटात हातूतलो फरक किते तेय ह्या संशोधनांत मांडप जाला.

ह्या समाजाची लोक संख्या कितली धर्म, जाती प्रमाण हेय विभागणी पळोवप ह्या संशोधनांतल्यान जालें.

## 1.2 अभ्यासाची उदिश्टां

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी समाजाचेर अभ्यास जावुना हाका लागून ह्या समाजाचेर अभ्यास जालो. तशेंच वाठारांची भुगोलीक संस्कृतीक वळख जाणून घेवपां खातीर. ह्या समाजाची गरज किते ह्या समाजान उलयली वेगळी वेगळी

उतरावळ एकठांय करपाक हो विशय अभ्यासाक निवडलो. तांच्या कडल्यान आमका कितें नवे मेळूक शकतले हांचो सोदवावर ह्या अभ्यासात जालो. आधुनीक कारणाक लागून भास ना जाववपाचे वाटेर आसा ते नदेरतल्यान संशोधन जालो.

## 1.3 प्रबंधिकेची समस्या

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी समाजाचेर आयज मेरेन अभ्यास जावंक ना. तशेंच ह्या समाजाची भुगोलीक संस्कृतीक वळख जाल्ली ना. ह्या समाजाची वेग वेगळी उतरावळ आमका खंयच्या साहित्यांत पळोवक मेळ्ळी ना. हांका लागून नवी उतराचो तशेंच आनीक किते नवे सोद घेवपाचो यत्न केला.

## 1.4 विशयाचो आवाठ आनी मर्यादा

ह्या प्रबंधाच्यो कांय मर्यादा सकयल माडल्यात-

- अभ्यास करतना पुराय साश्टी वाठार घेनासतना फकत बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारूच घेतला.
- ह्या दोनूय वाठाराच्या खेरवी समाजाचेर अभ्यास केला.
- तशेंच बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांची भुगोलीक आनी संस्कृतीक वळख ह्या संशोधनात जाली.
- वेवसायीक उतरावळी भितर बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्या नुस्तेमारी वेवसायातली उतरावळ घेतल्या. कारण खारवी समाज ह्या दोन वाठारात अदीक रितीन घोळटा.

## 1.5 अभ्यासाची उपयुक्तताय

खारवी समाजाचेर अभ्यास केली पुस्तकां आमका मेळना. तशेंच आमका कोंकणी साहित्यांत समाजाचेर बरयली थोडींच पुस्तकां मेळटात जाचेंर अभ्यास जाला. समाजाचेर आमका अभ्यास करतना थोंडेच जाण दिसतात. हाका लागून नव्या विशयाचेर अभ्यास केल्ल्यान तरणाटे मदीं आवड निर्माण जातली आनी फुडली पिळगी असल्या विशयांचेर संशोधनात वावर करपाक मुखार सरतलें. खारवी बोलयेचें लिखीत रूपात जतन जातलें. तशेंच गोंयचे समाजाचेर चड अभ्यास जावक ना हांका लागून समाजाची वळख जाली.

## 1.6 सोद वावराची पध्दत

हो सोद वावर करतना पयली अभ्यासकात समाजाचेर अभ्यास केली पुस्तका तशेंच हेर भाशेंतली वाचल्यात. उपरांत हांव बेतुल आनी वेळ्ळी पंचायतीन वचून कांय म्हायती ह्या समाजाचेर एकठाय केली. ताच्या उपरांत हांव बेतुल आशिल्या तारीवाडो, पोस्टवाडो आनी पिरावाडो ह्या गांवच्या खारवी लोका कडेन आनी वेळ्ळी गांवच्या बापसोरा आनी रंगगालिम रावपी खारवी लोका कडल्यान मुलाखत आनी संपर्क सादून ह्या समाजाची पुराय म्हायती एकठाय केल्या.

## 1.7 साहित्य नियाळ

डॉक्टर डॅनीस वाझ हाणें कुंडतरी वाठारांल्या गावडा समाजाचेर प्रबंध केला. तातूंत ताच्यांनी वाठारांची भुगोलीक आनी संस्कृतीक वळख माडून उपरांत समाजाची

वळख माडल्या हें म्हाका तांच्या प्रबंध वाचून कळ्ळे. तशेंच ताच्या प्रंबदात त्या समाजाची वेग वेगळी उतरावळीची कशी फोडनी केल्या ती प्रबंध वाचून जाणवलें.

बेतुल आनी वेळीम वाठारांतलो खारवी समाजाचेर संशोधन करतलो तेन्ना बेतुल वाठार कसो आयलो त्या वाठारांची इतिहासीक फाटभूंय कशें तरेन एक वेंगळे नदरेंतल्यान माडूक पावतलो हें सगळें डॉक्टर डॅनीस वाझ हांचो प्रबंध वाचून कळ्ळें. तशेंच वेग वेगळी उतरावळ एका समाजाचेर हांव म्हजे संशोधन करपी समाजाचेंर माडूक पावलो.

जेन्ना आमी एका समाज घेवन तें समाजाचें वेग वेगळें विशय कशें तरेंन माडूक शकतात हों प्रबंध म्हाका वाचून कळ्ळें. हांव बेतुल आनी वेळ्ळी खारवी समाजाचेंर असलेंच कांय विशय मांडल्या देखीक- ह्या समाजाची हिंन्दू, क्रिसताव आनी मुसलीम लोकाची लोक संख्या तशेंच समाजाची लोकसंस्कृताय आदी ह्या संशोधनातल्यान मांडल्या.

आकाश गावकार हाणें कर्नाटक राज्यांतल्या येल्लापुर वाठारांत राबितो करून आशिल्ल्या वंशीय कोंकणी भाशाक सिद्दी लोकसंस्कृतीक अभ्यास हो प्रबंधीका केल्या. तें वेग वेगळे विशय ह्या समाजाचेर घेवन संशोधन केल्ला हें म्हाका हो प्रबंदीका वाचून कळून आयलें काय वेगळे विशय वा वेग वेगळी उतरावळ, त्या समाजाची भाशीक, संस्कृतीक नदरेंतल्यान पुराय तरेंन पुरावे दिवून गाबीत समाजाचेर संशोधन जातलें. जें कितें वेगळे ह्या समाजा कडेन आसा तें संशोधन करून त्या समाजाची वळख कोंकणी लोकामेरेन ल्हानसो हाडपाचो यत्न आसा.

तशेंच बेतुल वाठारांतल्या खारवी समाजाचेर वेबसायट्य वाचतना म्हाका कांय कडेन हें मेळ्ळें की हो समाज दोन नांवानी वळखतात एक गाबीत समाज आनी दुसरो खारवी समाज अशें म्हाका कांय कडेन वाचतना मेळ्ळे. हांका लागून हाचेर संशोधन करून ह्या समाजाक किते म्हणटा तें पुरावे दिवून ह्या संशोधनातल्यान स्पश्ट केलां.

आयकूंक आयल्ली देखीक- गाळ्यो, खाणा जेवणा, शेती आदी व्यवसायतलीं उतरा. हातूतल्यान ही उतरा घेवुन तांची फोडनी केल्या.

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्या पंचायतीन वचुन हावें पचांयतील्या कर्मचार्या कडेन मुलाखत घेतल्ली. तांचे कडल्यान म्हाका पुराय बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांची समाजीक आनी संस्कृतीक वळख मेळ्ळी. तशेंच त्या वाठारांता खारवी समाज खंय रावतात? तें कितें वेवसाय करतात? तें तांच्या मुलाखतींतल्यांन मेळ्ळें.

**<u>संदर्भ:</u>**

1.वाज, डेनीस. कुडतरीचीं शेताःउतरावळ. जाग, ताळगांव गोंय. 2009.

2.गावकार, आकाश. कर्नाटका राज्यांतलो सिद्दी समाजाचो प्रबंदीका, गोंय विद्यापीठ. 2023.

3.केणी, चंद्रकांत (Translated). भारतीय समाज. नवी दिल्लीः नॅशनल बूक टस्ट, 1999.गावकार, आकाश. कर्नाटका राज्यांतलो सिद्दी समाजाचो प्रबंदीका, गोंय विद्यापीठ. 2023.

4.वेरेंकार, श्याम. कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाषा मंडळ विध्यानगर मडगांव गोंय,मार्च 2003.

## मुलाखत

1. नितेश गावकार, वयः33, ता. 1 ऑक्टबर 2023, बेतुल, गोंय.
2. सुदाकर जोशी, वयः65, ता. 1 ऑक्टबर 2023, बेतुल, गोंय.
3. विनय तारी, वय 45, ता. 25 दिसेंबर 2023, वेळ्ळी, गोंय.
4. विना कारदोजो, वय 55, ता. 12 जानेवारी 2024, वेळ्ळी, गोंय.

## वेबसायट्य

1. https://en.m.wikipedia.org
2. http://prashila9.weebly.com

# प्रकरण- 02

2.1 बेतुल वाठाराची भुगोलीक वळख

2.2 बेतुल वाठाराची लोक संख्या

2.3 बेतुल वाठारांतली समाज वेवस्था

2.4 वेळ्ळी वाठाराची भुगोलीक वळख

2.5 वेळ्ळी वाठाराची लोक संख्या

2.6 वेळ्ळी वाठारांतली समाज वेवस्था

# 2. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठाराची भुगोलीक आनी संस्कृतीक वळख

## 2.1 बेतुल गांवची वळख

बेतुल हो केंपे तालुक्यांतलो पडपी गांव. बेतुल गांवांतल्यान साळ न्हंय व्हांवता. ही न्हंय केंपें तालुक्यांतल्या बेतुल गांवांक साशटींतल्या वेळ्ळी गांवां कडल्यान वेगळी करता . आदल्या काळार बेतुल गांवांत भितर सरपा खातीर न्हंय ओलाची पडटाली. ताका लागून बेतुल गांवांत तारी आशिल्ल्यो ज्यो बेतुल आनी वेळ्ळी गांव जोडटाल्यो. ह्या तारीं वयल्यान लोकांचें येवप वचप जातालें.'[1]( नितेश गांवकार- पंचायत सेकरट्री बेतुल)

बेतुल गांवांक अरबी दर्यादेग लागता. हाका लागून ह्या वाठारांत रावपी लोक खारवी समाजाचे आशिल्ले दिश्टी पडटात. ते नुस्तेमारी वेवसाय करून आपलें पोट भरतात. बेतुल गांवच्या खारव्यांचें एक खाशेलेपण म्हणल्यार, ह्या गांवचें नुस्तें पुराय गोंयांतूच न्हय तर भारताच्या हेर राज्यांनी तशेंच भायल्या देशांनी वता. तें गांवचे खारवी लोक सांगतात, 'राजापूर शारान ते शेती वेवसाय करताले पूण बाटाबाटीक लागून ते बेतुल गांवांत पावले आनी स्थायीक जाले. आपलें पोट भरपा खातीर नुस्तें मारपाक लागले. ते मारतनाच तांकां नुस्तें मारपाची कुशळटाय आयली आनी मागीर तांच्यांनी तो वेवसाय म्हण आपणायलो.' [2] (विनय तारी- बेतुल)

इतिहासाच्या नदरेंतल्यान पळयल्यार बेतुल गांवांत एक किल्लो आसा. तो किल्लो शिवाजी महाराज हांच्या नांवार बांदिल्लो दिसता. शिवाजीच्या नांवांर पुराय देंशात

खुबश्या राजानी किल्ले बादिल्ले दिसतात तातूंतूच गोंयांत बांदिल्लो एक किल्लो म्हणल्यार, 'बेतुल फोर्ट'. हो किल्लो बेतुल गांवांतल्या तारी वाड्यांर दर्याचे देगेर आशिल्लो दिसता. हो किल्लो 1679 वर्सा 'हवलदार बाल्ली' हाणें बादिल्लो. 'जायत्या शेकड्यां उपरांत फाटल्या पांच वर्साच्या काळांत हो किल्लो मडगांवच्या 'हिसट्री लवर्स' ग्रुपान सोदून काडलो.' 'योगेश नागवेकार' हो ह्या ग्रुपाचो मुखेल आशिल्लो. ताच्यांनी हो किल्लो सोदून काडलो अशें गावचें लोक म्हणटात.'[3](सुदाकर जोशी). हांच्या पयली हो किल्लो आशिल्लो म्हूण कोणाक खबर नाशिल्ले.

## 2.2 बेतुल गांवची लोक संख्या

'बेतुल गांवची जमीन 12.76 चौ. किलोमिटर इतली आसा. ह्या गांवांत वट्ट सात वाडे आसात तें म्हणल्यार पोस्टवाडो, तारीवडो, वोलीर, पिरावाडो, नाकेरी, कॉझुनीम-1 आनी कॉझुनीम-2. ह्या गांवांत सुमार 790 घरां आसात. ह्या गांवांत 3280 लोक रावतात. पोस्टवाडो गांवांत सुमार 355 लोक आसात. तशेंच तारीवाडो 375, वोलीर 455, पिरावाडो 638, नाकेरी 500, कॉझुनीम-1 449, कॉझुनीम-2 478 सुमार लोक आसात.'

तातूंत 1083 अनुसुचीत जमातीचे (Scheduled tribe) लोक, 622 जनरल (General) जमातीचे लोक आसात. खारवी समाजाचीं सुमार 65 घरां आसात, जातूंत 450-500 लोक आसात. नुस्तेमारी वेवसाय हो खारवी लोकांचो मुखेल-वेवसाय आसा.

## 2.3 बेतुल गांवची समाज वेवस्था आनी भास

बेतुल गांवांत वेगळ्या वेगळ्या समाजांचे लोक रावतात. जशे खारवी, पागी, गावडा, आनी वेळीप. हे समाज वेग वेगळे वेवसाय करतात. खारवी समाज नुस्तें मारी वेवसाय करता. हें नांव तांच्या समाजाक, नुसत्याच्या वेवसायाक लागून पडलां अशें ते म्हणटात. तशेंच पागी समाज हो नुस्तें मारपाचो वेवसाय करतात. गावडा समाज जो वोलीर वाड्यांत आसा तो गोरवां राखपाचो आनी शेती वेवसाय करतात. नाकेरी वाड्यांतले लोक जे वेळीप समाजांत पडटात ते शेती वेवसाय करता.

आनी समाजा प्रमाण भास बदलता ते बेतुल वाठांर पळयतकच कळटा. बेतुलचो खारवी समाज आमकां मालवणी आनी पेंडणे वाठारांतली भास उलयतना दिश्टी पडटा. तशेंच बेतुलचो गावडा समाज साश्टी लोक उलयतात तशी उलयतना आयकूंक येता. एकूच वाठांरांत रावून कोंकणीच्यो दोन बोलयो कश्यो उलयतात हें आमका बेतुल गांवांत पळोवपाक मेळटा. कोंकणी भास उलोवप हें बेतुल गांवच्या गावडा, वेळीप समाजान तिगयलें. पूण खारवी समाजाच्या लोकां मदीं पेडणें, मालवण वाठारांतलीं उतरां रिगलीं दिश्टी पडटात. देखीक पाणीं, उदींक आदी. हे लोक पयलीं मालवण, राजापूर गांवांत रावताले  हाका लागून ह्या समाजाची भास मालवणी, पेडणें वाठारांतली आसा हें होलमता. भास ही लोकांनी आळून टिगोवन दवरिल्ली दिसता. पूण काळ वचत आसा आनी 70 वर्सा आदली पिळंगी आता खूब कमी मेळटा. तशेंच आताची तरणी पिळगी हेर समाजा कडेन भरसल्यात आपल्या लोकाकडेन उलयतना तांची मालवणी उलयतात पूण उलयतात तांची मालवणी

उलयतात पूण हेर समाजा कडेन उलयतना जांव केन्ना केन्ना तांचे मदीय उलयतात ते ही भास उलोवपाक सोदीना विचाराल्यार लज दिसता म्हण सांगतात. हे दृश्टीन हों भाशेचें डॉक्युमेटेशन जावप गरजेचें आसा. साश्टी, केपें सारक्या वाठारांत आपल्या भाशेंचे आलिस्पण ह्या लोकांची टिकोवन दवरलां हे म्हत्वाचें.

## 2.4 वेळ्ळी गांवची वळख

साश्टी ह्या तालुक्याचें नांव, सासश्ट गांव मेळून तयार जालां. तातूंतलोच एक वेळ्ळी गांव, जो साश्टीच्या मडगांव शारा पासून सोवळा किलो मिटरांच्या अंतरार आसा. वेळ्ळी गांवांक वेगळ्या वेगळ्या नांवांनी वळखतात. वेलेम, वेलीयापुरा अश्या नांवां आशिल्लीं दिसतात. वेळ्ळे गांवचें नांव ‘वेळ ’ म्हणल्यार शोर आनी ‘हळ्ळी ’ म्हणल्यार गांव ह्या उतरां वयल्यान पडलां. गोंयच्या खुबश्या गांवांक अशींच नांवां पडल्यांत.

वेळ्ळी आनी बेतुल एका मेकाक तेकूंन आसात. हाकां लागून पयलीच्या काळार दोनूय गांवांक जोडपाक तार आशिल्ली आता आमका थंय ब्रियज बादिल्लीं दिश्टी पडटा जी दोनूय वाठारांक जोडटा. जसो बेतुल गांव खारवी समाजांक लागून फामाद आसा तसोच वेळ्ळी गांव खारवी समाजांक लागून फामाद आसा. हो गांव नुस्तें मारपी वेवसायाक लागून फामाद आसा.

वेळ्ळी गांवांत साळ न्हंय व्हांवता. पुराय वेळ्ळी गांवचो हिंन्दू खारवी समाज आनी क्रिंस्ताव खारवी समाज ह्या न्हंयेंत नुस्तें मारपाचो वेवसाय करतात. तशेंच ह्या गांवचे लोक न्हंयतल्यानूच बेतुल गांवच्या दर्यांत नुस्तें मारपाक वतात, अशें थंयचें

लोक म्हणटात. 'तशेंच गांवचें लोक अशें म्हणटात की सेंट फ्रांसिस जेवियर 1500 शतकांत पुर्तुगेज- भारत झुज चलतालें तेन्ना तो आपल्या मिशनरी कामाक लागून ओल्ड गोवा वचपा पयली तो काबो द रामा फोर्टा वयल्यान तो वेळ्ळी आयिल्लो अशें सांगतात.

## 2.5 वेळ्ळी गांवची लोक संख्या

"वेळ्ळी गांवचीं जमीन णव किलोमिटर आसा. ह्या गांवांत वट्ट णव वाडे आसात. हे वाडे म्हणल्यार उबदांडो, कुमेभाट- पॅकसेल, गोरकोमोरॉड, सिबरेट, तोळेकॉटो, बापसोरा, रगंगालिम, कुटबॉनां आनी फोडॉप. ह्या गांवांत सुमार 1300 घरां आसात. ह्या गांवांत 6509 सुमार लोक रावतात. उबदांडो गावांत सुमार 424 लोक आसात. तशेंच कुमेभाट- पॅकसेल- 506, गोरकोमोरोड 721, सिबरेट 367, तोलेकॉटो 740, बापसोरा 880, रगंगालिम 891, कुटबॉना 526, फोडॉप 513 सुमार लोक आसात.

तातूंत 138 अनुसुचीत जातीचो ( Scheduled cast) लोक, 2113 अनुसुचीत जमातीचे (Scheduled tribe) लोक ,1651 जनरल जमातीचे (General) लोक आनी 2607 सुमार कमी जतीचे (OBC) लोक आसात. बापसोरा आनी रगंगाळीम ह्या दोनूय वाड्यांत खारवी लोक आसात. नुस्तेमारी वेवसाय हो ह्या लोकाचो उप-मुखेल आसा."[4] (विना कारदोजो-सरपंच वेळ्ळी)

## 2.6 वेळ्ळी गांवची समाज वेवस्था

वेळ्ळी गांवांत वेग वेगळ्या समाजाचे लोक रावतात ते म्हणल्यार खारवी, गावडा. हे समाज वेग वेगळे वेवसाय करतात. खारवी समाज नुस्तें मारी वेवसाय करता जाल्यार गावडा समाज गोरवां राखपाचो वावर करतना शेतीवेवसाय करता. वेळीप कुमेभाट- पॅकसेल वाड्यांत लोक आसात तें काजु आनी आंबे रोवपाचो वेवसाय करतात.

**<u>संदर्भ:</u>**

**मुलाखत**

1.नितेश गावकार, वयः33, ता. 1 ऑक्टबर 2023, बेतुल, गोंय.

2.विनय तारी, वय 45, ता. 25 दिसेंबर 2023, वेळ्ळी, गोंय.

3.जोशी सुदाकर, वय 57 ता 18 ऑगस्ट 2023, बेतुल, गोंय

4.विना कारदोजो, वय 55, ता. 12 जानेवारी 2024, वेळ्ळी, गोंय.

# प्रकरण- 03

3.1 समाजाची वळख

3.2 देव, देवस्पण आनी श्रध्दा

3.3 सणो परबो

3.4 लोकगितां

3.5 लोकनाच

3.6 लोककाण्यो

3.7 लोक अन्नसंस्कृती

3.8 लोक वाद्यां

# 3. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी समाजाची लोकसंस्कृताय

## 3.1 भारत देशांत वेग वेगळ्या वाठारानी राबीतो करपी खारवी समाज

भारतांत खारवी समाजाचे लोक आमका वेग वेगळ्या राज्यांनी पळोवंक मेळटात. तीं राज्यां म्हणल्यार महाराष्ट्र, कर्नाटक, गोंय, केरळ, ओडिशा, आद्रप्रदेश आदी. तशेंच त्या खारवी लोकांक तांच्या राज्या प्रमाण वेगळ्या वेगळ्या वळखतात. महाराष्टान ताका कोळी म्हणटात जाल्यार कर्नाटकान तांक गाबीत समाज म्हूण वळखतात. तशेंच तांकां गोंयांत खारवी म्हूण वळखतात. जरी तांका आपल्या वाठारा प्रमाण वेगळी नावां आसलीं तरी तांचो वेवसाय एकूच आसा तो म्हणल्यार नुस्तेमारी.

गोंय हें महाराष्ट्र आनी कर्नाटक राज्याक लागी आशिल्ले कारणान आनी हे तिनय वाठार अरबी दर्या तडीर आशिल्यान आमका ह्या वाठारात खारवी समाजाचें लोक दिश्टी पडटात. महाराष्टान आमका खारवी समाजाचे लोक राजापूर, रतनागिरी, मालवण, चिपळून, मुंबय आनी फुडें मेळटात जंय तांकां कोळी म्हणटात. जाल्यार कर्नाटकान आमका कारवार, माजाळी वाठारांत हें समाजाचें लोक राबीतो करतना दिश्टी पडटात. जांकां गाबीत म्हणटात बेतुल वाठारांचे लोक सांगतात ते प्राण. तशेंच काय गोंयचे लोक म्हणटात की गोंयचे खारवी लोक केरळात वचून स्थायीक जाले आनी थंय ताच्यांनी नुस्तेमारी धंदो चालू केलो.

## 3.2 गोंयच्या खारवी समाजाची वळख

संवसारांत दर एक समाज म्हत्वाचो थारता. दर एक समाजाची आमका वेगळीं खाशेलपणां पळोवंक मेळटा. गोंयांत आमका वेग वेगळे समाज पळोवंक मेळटा. ते काय समाज म्हणल्यार गावडा, वेळीप, धनगर आदी. तातूंलोच आनीक एक समाज म्हणल्यार खारवी. गोंय म्हणल्यार सगळ्यांच्या मनांत एकूच  येता तें म्हणल्यार गोंयचो दर्या आनी गोंयचें नुस्तें. नुस्तेमारी वेवसायाक लागूनच गोंयच्या खारवी लोकांची वळख आसा. गोंयात आमका खारवी लोक जायत्या वाठांरानी पळोवंक मेळटात ते म्हणल्यार कळंगुट, बागा बाणवली, वार्का, कोलवा, कारमोणा, केळशी, माजोड्डा, पेडणें, कुभारजुवें आदी. हातूतलेंच आनीक दोन म्हत्वाचें वाठार जें ह्या वाठारांत संशोधन करपा खातीर घेतल्यात तें म्हणल्यार साश्टींतलो बेतुल आनी केपे तालुक्यातलों वेळ्ळी वाठार जंय आमका अदीक प्रमाण खारवी लोक दिश्टी पडटात, जें लोक आपले पोट नुस्तेंमारी वेवसाय करून भरतात.

खारवी लोक जे बेतुल वाठारांतल्या तारीवाडो आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या बापसोरा आनी रंगगालिम ह्या वाड्यांत स्थायीक जाल्यात तें गोंयांत सुमार 150-200 वर्सां फाटी आयल्यात. हे खारवी भायल्यान हांगा येवन स्थानीक जाल्यात अशें म्हायती स्थायीक लोक दितात. जें खारवी ह्या दोनूय वाठारांत आसात तें मूळ महाराष्ट्रांतल्या राजापुर, मालवण आनी रतनागिराच्यान गोंयांत येवून स्थायीक जाल्यात अशी म्हायती गांवचे लोक दितात.

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत जे खारवी रावतात ताचे फाटले कारण म्हणल्यार ते राजापुर आनी रतनागिरी आशिल्ले तेन्ना ताच्यां भितर भाटाभाटीक आनी पोटा खातीर तें गोंयच्या ह्या दोनूय वाठारांनी स्थायीक जाल्ले आसात. तशेंच काय

खारवी जें बेतुल गावांत स्थायीक जाल्यात तें पेडणें गांवचे अशीय म्हायती गांवचे स्थानीक दितात. गोंयात येवन ताणी नुस्तेमारी वेवसाय सुरू केलो हाचे फाटले कारण जेन्ना तें गोंयात आयले तेन्ना पोट भरपा खातीर तांच्या कडेन पयशे नाशिल्ले हांगां ताणी पोट बरपा खातीर नुस्तेमारी वेवसाय सुरू केलो ह्या दर्यांत मेळटालें  नुस्ते ते विकताले तातूंत ताचें पोट भरताले अशें म्हायती गांवचे लोक दितात. इतलेच न्हय हळू हळू तांणी हें नुस्तें भारतांत आनी परदेशांत विकपाक सुरवात केली. आयज तांचें नुस्तें कणकवली, सावंतवाडी, कुडाळ आदी वाठारांत वतात. तशेंच मडगांव मारकेट आनी तांचो गांव हे नुस्तें विकपाचो मुखेल केंद्रस्थाना आसात. [1](विकास जाधव- राजापूर)

खारवी हें नांव ताकां पडपा फाटलें कारणा म्हणल्यार जें स्थानीक लोक सांगता तें म्हणल्यार जेन्ना हें लोक बाजारांत नुस्तें विकपाक वतालें तेन्ना ताकां लोक खारी खारी म्हणटाले हाचे वयल्यान तांचे नांव खारवी पडलें जाल्यार काय लोक अशें म्हणटात की जेन्ना हें लोक राजापुर आनी रत्नागिर आशिल्ले तेन्ना ताकां कोळी म्हणटाले पूण जेन्ना तें गोयांत येवन बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत स्थायीक जाले तेन्ना तांच्या भितर एक बसका घेतली आनी ताच्या उपरांत गोंयच्या आनीक काय वाठारांत जें नुस्तेंमारी वेवसाय करतात तें खारवी म्हणटात म्हूण ताच्यांनी लेगीत त्या बसकेंत कोळी आसले तें खारवी केले अशें गांवचे लोक म्हणटात.[2]( दिनू जोशी)

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी लोकांची एक वेगळीच अशी भास आसा. तांची भास ही मालवणी आनी पेडणें बोलयेतल्यान एका मेकाक भरसून तयार जाल्ली आसा. हें आमका त्या वाठारांत उलोवपी लोका कडेंन आनी तांच्या वेग

वेगळ्या वाक्यातल्यान आनी उतरावळींतल्या दिसून येता. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक जेन्ना उलयतात तेन्ना तें मालवणी वा पेडणें बोलयेतल्यान उलयतात कशें दिसतात. देखीक जेन्ना आमी प्रमाण कोंकणीत उदक म्हणटात जाल्यार पेंडणे बोलयेन ह्याच उतराक 'उदीक' म्हणटात. तशेंच बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी ह्याच उतराक 'पाणी' म्हण्टात. अशीं ह्या खूब उतरानी आमका बारीक बारीक बदल दिश्टी पडटा हांका लागून हें लोक जेन्ना उलयतात तेन्ना ते पेंडणें, मालवणी बोलयेन उलयलें कशे दिसता. प्रमाण कोंकणी भास उलयतना ह्या लोकांक ती समजूंक त्रास जातनाय दिसता. देखून मराठी भाशे कडेन तांचो मुळ आशिल्लो दिसता.

खारवी समाज जो गोंयांत स्थायीक जावपा पयली तें नुस्तेंमारी वेवसाय करतालेच पूण वांगडा ते गोरवा, बोकडी राखून आपले पोट भरतालें. पूण जेन्ना तें भाटाभटीक लागून गोंयात येवुन स्थायीक जाले तेन्ना सावन ताच्याणी गोरवा, बोकडी राखपाचें बंद केल्ले आनी हांगा येवन तांच्यानी पोट भरपा खातीर नुस्तें मारून आनी विकून तें आपले पोट भरूक लागले. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो हो खारवी समाज नुस्तेंमारी वेवसाय सोडून आनी कसलोच वेवसाय करना जें किते आसा तें नुस्ते मारून विकून आपले पोट भरतात अशीं म्हायती स्थानीक लोक दितात. तशेंच आतां हो लोक सरकारी नोकरी करूंक लागला. ते भायर जायते जाण आतां कामाक म्हूण भायल्या देशांनी वचूंक लागल्यात हेय दिश्टी पडटा.

## 3.3 बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले देव, देवस्पण आनी श्रध्दा

देव ही संकल्पना केन्ना आनी कशी जल्माक आयली हाचे पुरावे कोणाक मेळनात. पुण आमच्या समाजान देवाचे बद्दल वेगळे वेगळे समज आनी सिध्दांत आयज लेगीत तयार जातना दिश्टी पडटात. 'God, the supreme or ultimate reality. Such as the being perfect in power, wisdom and goodness who is worshiped (as in Judaism, Christianity, Islam, Hinduism etc.) as creator and ruler of the universe'.(https://www.merriamwebster.com/dictionary/god) अशी देवाची व्याख्या मेळटा.

देव ही सकारात्मक तांकत अशें मानतात. देव हो सगळ्याक आसता अशें म्हणटात. ताची शक्त अनंत आसता, तो खंय आसता तें कोण सांगपाक शकना. पूण ती खात्री सगळ्या भक्तांक ह्या पृथवेचेर रावता तांकां आसता. ह्या संवसारांत वेग वेगळे समाज वेग वेगळे देव मानतना दिश्टी पडटात. देवाक वाठारा प्रमाण देवाचें रूप आनी नांव बदलता. कांय फावटी देव एकूच आसता पूण ताचें नांव दुसरया वाठारांनी दुसरें आसता. देखीक जेन्ना आमी मुंडेश्वर आनी कुंकेश्वर ह्या दोनी देवळांची नांवां घेतात तेन्ना ती दोनूय नावा महादेवाचे रूप पूण वाठारां प्रमाण नांव बदिल्लें दिसता.

भारतांत तेतीस कोटी देव आसात अशें मानतात. तेतीस प्रकारांचे देव आनी तांचेच वेगळे वेगळे अवतार आमचें भारतीय लोक पुजतात अशें मानतात. संवसारांत पळयत जाल्यार मनीस फकत देव पुजता अशें ना. कांय लोक जनावरांक आनी वेगवेगळ्यो जीव जिवावळींक पुजतात आनी तांकां देवा सारकोच मान दितना दिश्टी

पडटा. संवसांरात देवाक धरून लोकांच्या मनांत साबार श्रध्दा तयार जाल्यात. आनी काळंतरा ह्यो श्रध्दा तांकां तांच्या देवाच्या लागसार व्हरतात आनी तांच्या सदच्या जिणेचो भाग जातात. अशें कांय बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतय पुजिल्ले पळोवंक मेळटात.

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत खारवी समाजाचे तीन वाडे आसात. जय तांच देव जावं राखणदार मेळटात. तें म्हणल्यार बेतलात पडटा तो तारीवाडो आनी वेळ्ळी वाठारांत पडपी बापसोरा आनी रंगगालिम. ह्या तिनुय खारवी लोकाचें आपलें अशे कुळ देव आसात. ह्या तिनूय वाड्यांत तीन देवळां आसात. जें खारवी बेतुल गांवचे तारीवाड्यांत रावतात थंय चौचार देव आनी महादेवाचे देवूळ आसा. जें खारवी तारीवाडो ह्या वाड्यार स्थायीक जाल्यार तें मूळ मालवणचे आनी तांचो कुळ देव रामेश्वर जो मालवणात आसा हे खारवी वर्सान एक फावट तरी तांच्या कूळ देवा कडेन वतात. तशेंच जे खारवी वेळ्ळी वाठारांच्या रंगगालिम वाड्यार स्थायीक जाल्यात तांच्या वाड्यार गोपाळकृष्णाचें देवळ आसा. हें खारवी पेंडणेच्यान हांगा येवन स्थायीक जाल्यात आनी तांचो कुळदेव पेंडणेचो आजोबा आसलो अशीं म्हायती मेळटा. आनी जें खारवी वेळ्ळी गावच्या बापसोरा वाड्यात स्थायीक जाल्यात तें मूळ राजापुरचें. तांच्या वाड्यांर रामाचे देवूळ आसा. ह्या लोकाचो कुळदेव राजापुरची नीना देवी आसा अशीं म्हायती लोका कडेन मेळटा.

तशेंच ह्या तिनूय खारवी वाड्याचो एक राखणदार आसा जाका खणी देव म्हूण वळखतात जो बेतुल गांवच्या तारीवाडो ह्या वाड्यार आसा. मदीच ह्या देवळाचें खणेश्वर म्हूण नांव पूण स्थानीक लोकान तो राखणदार म्हूण ईक्ष्वर काडलें आनी

ताका खणी देव नांव दवरलें अशी म्हायती मेळटा. ह्या राखणदाराक सागणें म्हूण जितो कोबो सोडपाची प्रथा आसा. जो देवळाक सोडले उपरांत कोणय जनावरा खाता पूण लोकानी हांगा रक्ताचो नेवैदय दाखोवंक जायना. जनांवराची हत्या हे पाप अशें हे लोक मानतात. आनी तशें केल्यार वायट म्हणपाची तांची श्रध्दा आसा. तिनय खारवी वाड्या वयल्या लोकांक ह्या राखणदारा कडेन पूजा करपाचो अधिकार आसा. ह्या देवळाची जात्रा जून तें जुलै म्हयन्यात आसता. जेन्ना बोट नुस्तें मारपाक बायर काडटात सगळ्यात पयली ह्या देवा कडेन पांयां पडून वतात. तशेंच परत येतना कितल्यो बोटी नुस्तें मारपाक वचु ताच्यानी बारीक वा मोटे कसलेंय नुस्तें मेळटा तातूंतलें एक नुस्तें ह्या देवळा मुखार उडोवन बोट भितर घेवंक जाय अशी म्हायती मेळटा. तांची श्रध्दा आसा हो देवाचो वांटो अशें ते मानतात.[3](रवि जाधव)

**बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत्या खारवी लोकाचे देव**

1. **गणपती**

   बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले हिन्दू खारवी लोक गणपती गोंयांत येवपा पयली सावन पुजतात. पूण ज्यों फुगड्यो तें गणपती मुखार घालतात त्यों तांचांनी गोंयांत येवन घालपाक सुरवात केली. कसली आडचण आयल्ली जाल्यार तें सगळ्यांत पयली गणपतींक मागणें करतात.

2. **चौचार**

चौचार हो खारवी समाजाचो आनीक एक म्हत्वाचो देव. ह्या देवाचे देवूळ खारवी लोकांनी बेतुल गांवांतल्या तारीवाडो ह्या वाड्यार बांदला. देवूळ बादपा पयली थंय एक फातर आसलो आनी ताका देव म्हूण मानताले आता 5-6 वर्सां जाली थंय देवूळ बांदलें अशी म्हायती तांचे कडल्यान मेळी. ह्याच देवळा मुखार शिवरात्रेक पांच दिसांचो उत्सव जाता आनी ह्या उत्सवाक तिनूय खारवी वाडे एकठांय येतात.

**3. गोपाळकृष्ण**

गोपाळकृष्ण हो वेळ्ळी वाठारांत रावपी रंगगालिंम वाड्यार रावपी खारवी लोकाचो देव. जेन्ना तांचे पुर्वज हांगा आयले तेन्ना ताच्यानी हांगा एक धाकटें गोपाळकृष्णाचें देवूळ बांदले हालीच कांय वर्सां फाटीं तांच्यानी तेंच देवूळ मातशें व्हडलें बादले अशी म्हायती तांचे कडल्यान मेळी. गोपाळकृष्णाचे देवळा मुखार संवसार पांडव्याक मोठो उत्सव जाता तेन्ना सगळें खारवी एकठाय येतात.

**4. राम**

जेन्ना राजापुर सावन खारवी लोक वेळ्ळी वाठारांच्या बापसोरा गांवांत स्थायीक जाले तेन्ना तांच्यानी त्या गांवांत रामाचें देवूळ बांदले अशी म्हायती तांचे कडल्यान मेळी. ह्या देवळा कडेन रामनम आसता तेन्ना तिनूय वाठारांतले खारवी लोक मोट्या उमेदीन मनयतात.

**6. महादेव**

पुराय भारत महादेवाक पुजता. उतर तें दक्षीण मेरेन महादेवाची लोक पुजा करतात. बेतुल आनी वेळ्ळी गांवचे खारवी महाशिवरात्रेक महादेवाचे देवळान

वचून अभिशेक घालतात. आठ्वड्यातलो एक अभिशेक वाटून घेतला. तशेंच आठ्वडो ह्या खारवी घरांनी आठ्वड्यातलो आपळी पाळी सगळी सेवा तांणी करप.

## 3.4 खारवी समाजांतल्यो सण परबो

सण परबो ह्यो खारवी समाजाक एकठांय हाडटांत. वेग वेगळ्यो परबो हो समाज मनयतना दिश्टी पडटा. हे लोक सण परबो उमेदीन मनयतना दिश्टी पडटात. हो समाज जरी भायल्यान येवून हांगा स्थायीक जालो आसलो तरी तांणी हांगाची आनी थंयची संस्कृताय जपिल्ली दिसता. तितलेंच उमेदीन मनयतात. ह्या दोनूय वाठारांत आमकां फक्त हिंदू आनी क्रिस्ताव समाजाचें खारवी आसात म्हूण हांवें फक्त ह्या दोन समाजाच्यो परबो घेतल्यात.

## हिंदू खारवी समाजाचें सणो परबो:

### 1. दिवाळी

दिवाळी आमका पुराय भारतात लोक मनयतना दिश्टी पडटात. दिवाळी मनोवपा फाटी कारण म्हणल्यार नरकासुराचो कृष्णान केल्लो वधक पुराणीक जैत मनोवपा खातीर लोक दिवाळी मनयतात. दिवाळेक लोक पणट्यो पेटोवन उजवाड करतात. काळखांत लेगीत सकारात्मकतायेची पण्टी पेट्टा हें दाखोवपाक दिवाळी मनयतात. दिवाळी हो सण खारवी समाजाचे लोक राजापूर आसतनाच मनयताले. जरी हो समाज वेगळ्या वेगळ्या कारणाक लागून जरी बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत येवन स्थायीक जालो तरी तें तितलेंच उमेदीन हो सण मनयतात

अशी म्हायती ते लोक दितात. जशें लोक गोंयात नरकासुराची प्रतिमा करतात तशेंच हो समाज नरकासुराची प्रतिमा करतात आनी सकाळ फुडें उठून वेग वेगळे तरेचे गोडशें आनी फोव करून खातात. अशें तरेन खारवी समाज दिवाळी मनयताना आमका दिश्टी पडटा.

**2. चवथ**

चवथ ही गोंय, महाराष्ट्रा, कर्नाटक ह्या काय राज्यांनी मनयतात. तशेंच वेग वेगळे समाज आपल्या रिती रिवाजान हो सण मनयतात. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत खारवी लोक आपल्या रिती रिवाजान चवथ मनयतात. हिंदू खारवी समाजाचे लोक गणपती हाडून पुजतात आनी दिसाक दोन फावट आरती करतात. कांय लोक देड दीस, पांच दीस, सात दीस, णव दीस जाल्यार तशेंच इकरा दीस मनयतात. ह्या वाठारांच्या खंयच्याच घरानी आमका 21 दीस गणपती दवरनात अशें गावचे लोक म्हायती दितात. ह्या लोकांच्यो आरत्यो मराठी भाशेंतल्यान जातात. अशें तरेन हें लोक चवथ मनयतात.

**2. नागपंचम**

नागपंचमी दिसा हिंदू खारवी समाजाचे लोक नागाची पुजा करतात. ताका दूद घालून ताची पुजा करतात. ह्या सणाक हें लोक गोडशें तयार करतात आनी खातात. नागपंचम हिंदू खारवी समाजाचे लोक कांय घरांनीमनयतना दिश्टी पडटात अशें गांवचे स्थायीक लोक म्हायती दितात.[4](गोविंद तारी)

**3. महाशिवरात्र**

महाशिवरात्रेक बेतुल वाठारांच्या तारिवाडो ह्या वाड्यांर पांच दिसाचो एक व्हडलो उत्सव मनयतात. ह्या वाडयाच्या महादेवाच्या देवळा मुखार जाता. ह्या पांच दिसानी बेतुल आनी वेळ्ळी वाठाराचे हिंदू आनी क्रिस्तांव खारवी एकठाय येतात हाका लागून ही परब खूब म्हत्वाचीं थारता अशें गांवचे लोक म्हायती दितात. ह्या पांच दिसांनी त्या देवळा मुखार वेग वेगळे कार्यकम करतात. पुराय खारवी लोक ह्या पांच दिसांनी थंय पांया पडपाक येतात. तशेंच देवळा मुखार नाटकां जातात. गांवचे दांदले तशेंच बायलां आपणाक जाय ती गिता म्हणटात. ह्या पांचूय दिसांनी हे गांवचे लोक शिवराक जेवतात. अशे तरेन हो पाच दिसाचो उत्सव शिवरात्रेक व्हड उमेदीन मनयतात.

### 4. हळदी कुंकूम

हळदी कुंकूम ही हिंदू खारवी बायला जी बेतुल वाठारांत आसात ती मनयतात. हळदी कुकुंमाक बायलां दुसऱ्या घरांतल्या बायलांक आपवोंन तांकां नाल्ल, सुपारी, ब्लावज पीस, खावपाक कितेंय दिता अशे तरेन हळदी कुकूंम जाता. खारवी समाजात थोडीच बायला हळदी कुंकूम करतात अशींय म्हायती गांवच्या लोका कडेन मेळटा.

### 5. तुळशीचें लग्न

तुळशीचें लग्न हें सगळ्याच हिंदू घरांनी जाता. तुळशीच्या लग्नाक तुळशींत उस, आवाळो, चिंचेची बडी पुरतात आनी तिनसांजचें तुळशींचे लग्न करतात . हो सण तें गोंयात येवपा पयली सावुन करतात अशे ते सांगतात.

### 6. सुता पुनव

नारल पुर्णिमा हे उतर सुता पुनव बेतुलचे खारवी अशेंच वापरतात. खारवी समाजाची एक म्हतवाची परब. जी परब ते श्रावण म्हयन्यात मनयतात जी जुलै वा ऑगस्ट म्हन्यांत येता. सुता पुनवे दिसा वरूण देव हांची पुजा करतात. ते दिसा शीत, फुलां आनी नाल्ल हांचो प्रसाद करतात आनी देवा कडेन मागतात की तांकां उदकांत देंवता तेन्ना कांयच जावपाक जायना अशें मागून दर एक खारवी नाल्ल उदकांत सोडटा. तशेंच बायलां कळस पुजतात. ही दर्याची पुजा तांचे खातीर भावनीक दृश्टाच्या खूब म्हत्वाची आसा. तांचे खातीर दर्या म्हणल्यार पोट म्हण ही दर्याची पुजा ते मनभावनेन करतात.

**7. शिगमो**

शिगमो हों गोंयांत सगळें मनयतात. शिगम्याक लागून गोंयचीं एक वेगळीच वळख आसा. हों समाज कोंकणातल्यान आशिल्ल्यान खारवी लोक गोंयांत येवचे पयली सावन शिगमो मनयतात अशें गांवचे लोक म्हायती दितात. आता बेतुल आनी वेळ्ळी खारवी लोकाचो शिगमो देवळाच्या माडार जाता. हो माड चौचार देवाची घुडी आसा ताचे मुखार जाता. तांच्या शिगम्याक दादल्या वांगडा बायलोय आपणाक जाय तो लोकगितां गायतात. तशेंच शिगम्याक बायलां आनी दादले दोगाय भाग घेतात

**8. मकरसक्रांत**

मकरसक्रांतीक  खारवी लोक ऐकामेकाक तिळगूळ वाट्टात आनी ऐका मेकाक तिळगूळ घ्या गोड गोड बोला अशे म्हणटात. ह्या दिसा हें लोक गोडशे करतात आनी आपल्या घरांत गांवच्या लोकाय आपयतात अशे तरेन ही परब मनयतात.

**10.गुडी पाडवा**

गुडी पाडवा हो हिंदू खारवी जें बापसोरा गावात रावता तांचो हो एक म्हत्वाचो सण आसा. कारण तांचे वाड्यार जंय कृष्णाचें देवूळ आसा थंय घुडी उबारून पाडव्याची सुरवात जाता. हेर वाड्या वयले लोकय त्या देवळात येतात. तशेंच ह्या दिसा घरानी हे दिसा नुस्तें रानीनात. ह्या दिसा हें लोक दारा मुखार गुडी उबी करतात आनी तांची पुजा करतात. ह्या दिसा तें सकळाचें पुरण पोळी करतात आनी सांजेच्या वेळार मासाहरी जेवण करतात अशें तरेंन हें लोक गुडी पाडवा मनयतात.

11.**रामनवामी**

रामनवामीक हों खारवी लोक गोंयांत येवचे पयलीं सावन मनयतात. रंगगालिम ह्या वाठारांत रामाचें देवूळ आसा. हांगा चडशे जरी क्रिस्तांव  खारवी आसले तरी ह्या देवळाचें काळजी दोनूय समाज घेतात. हाका लागून हें गांवचे लोक रामनवामी मेळून मनयतात. रामनवामीक पुराय वाठारांत शिवराक जेवण जेवतात. तशेंच पुराय बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले हिंदू खारवी लोक ह्या देवळात रामनमीक येतात.

**क्रिस्ताव खारवी समाजाचे सण परबो:**

1. **नातलां**

नातलां हों सण संवसारांतल्या पुराय क्रिस्तांव धर्माच्या लोकाचो. जिणेंत सगळ्यांत म्हत्वाचो सण. तशेंच हो वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी समाजाच्या क्रिस्तांव लोकाचो म्हत्वाचो सण. ह्या सणाक हे लोक नेवऱ्यो, दोदल, दोश, लाडू सारकिल्ले खावपाचें पदार्थ करतात. 24 तारखेर राती सगळें क्रिस्तांव लोक

चर्चीत मिसाक प्रार्थना करूक वतात. सगळ्या क्रिस्तांव खारवी लोकाच्या घरा मुखार गोठो करतात. जरी बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत कमी प्रमाण आमका खारवी लोक दिसतात तरीय तें व्हड उमेदीन ही परब मनयतात.

**2. गूड फ्रायडे**

गूड फ्रायडे हो क्रिस्तांव समाजाचो आनीक एक म्हत्वाचो सण तशेंच वेळ्ळी वाठारांत रावपी क्रिस्तांव खारव्याचो म्हत्वाचो सण. ह्या दिसा जेजूक खुरसार चडोवन ताका खिळे मारून मारिल्लो. तशेंच ह्या दिसा जेजू ह्या संवसारांतल्यान अंतरलेलो अशें मानतात. जेजून क्रिस्ताव समाजाच्या बऱ्या जीण ओपिल्ली. ह्या दिसा सगळें क्रिस्तांव खारवी लोक जेजुचे यादीन चर्चीन वतात आनी गुड फ्रायडे मनयतात. ह्या दिसांनी हें लोक नुस्तें खायनात. पुराय क्रिस्ताव खारवी शिवराक जेवण जेवतात. अशें तरेन क्रिस्ताव खारवी गूड फ्रायडे मनयतात.

**3. इस्टर संडे**

नातलां उपरात क्रिस्तावांचो आनीक एक म्हत्वाचो सण म्हणल्यार इस्टर संडे. ह्या दिसा जेजू परत जितो जावन येलो अशें मानतात. ह्याच कारणाक लागून तो देवाचो पूत म्हूण पुराय संवसाराक जाणवलें. हाका लागून लोक इस्टर संडे मनयतात. ह्या दिसा खारवी लोक चर्चीत वतात आनी देवा कडेन प्रार्थना करतात. तशेंच पाद्री सगळ्यांच्या घरांत येवन पवित्र उदक पुराय घरांत शिपडायता आनी प्रादी आशिर्वाद दिता आनी सगळ्यो वायट गजाली कुटूंबा पासून पयस वचूं अशें मागता. इस्टर संडे हो सगळ्या क्रिस्ताव खारवी समाजांक म्हत्वाचो थारता. क्रिस्तांव लोक इस्टर पयली चाळीस दीस काय खायनात पूण

जशें इस्टरांचें मीस सोंपता तेन्ना तांच्या घरांत वेग वेगळ्यो पक्वानां करतात. हें दिसा हें लोक तरेकवार मासां रानतात. अशें तरेन खारवी लोक इस्टर संडे मनयतात.

**4. लादीन**

लादीन हीं गोंयांत सगळ्यां वाठारांत खुरसाच्या मुखार मनयतात. तशेंच आमका बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवीय मनयतात. पूण ह्या वाठारांत लोकाचे खाशेलेपण म्हणल्यार हांगां क्रिस्तांव खारवी लादीन करता अशें ना तर हिंदू खारवी लेगीत लादीन करतात. ही म्हायती वाठारांच्या त्या लोका कडेन मेळटा. तशेंच काय हिंदू खारवी लोकाचे घरा मुखार आमका खुरीस आसात तें पळोवक मेळटा हांचे फाटलें कारण म्हणल्यार तें खुरीस पयली सावन काय घरां मुखार आसात अशें त्या गांवचे लोक थंय हे लोक वर्साचें लादीन करतात.

## 3.5 लोक-अन्नसंस्कृती

मनशाक जशें उदक नासतना जगपाक जायना तशेंच खंयचोय मनीस ह्या संवसारांत अन्न नासतना जगूंक शकना. अन्न ही ताची नीज गरज जे ते नास्तो आनी जेवणाक करनात खास करून सणां परबांक कररतात जातूंतल्यान तांची अन्न संस्कृती दिसना. खारवी लोक नुस्तें मारपाचो वेवसाय करपाक लागले म्हूण तांचे मुखेल जेवण म्हूण नुसत्याचें हुमण आनी शीत उरलें. पूण सकयल बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी समाजाच्या लोकाचे अन्न पदार्थ आसात.

**1. शीत आनी नुसत्याचें हुमण**

गोंयचे लोक शीत आनी नुसत्याचें जेवण म्हणल्यार घोसताचें. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी तशेच आसात ताकां सदा शीत, हुमण आनी भाजिल्लें नुस्तें जाय पडटा. हें खारवी लोक गोंयांत स्थायीक जावचे आदी सावन तांकां शीत आनी हुमण जाय पडटालें. गोंयांत येवून लेगीत ताचे शीत आनी हुमण हो मुखेल जेवपाचो पदार्थ उरलो. जो गोंयच्या भौसाची मुखेल अन्न पदार्थ गणपती आनी महाशिवरात्रे सारकी परब सोडली जाल्यार तांच्या घरांनी संदा नुस्तें आसता अशें गांवचे लोक म्हायती दितात.

**2. पाव**

पाव हो पुराय गोंयच्या क्रिस्तांव समाजाक जाय. तशेंच वेळ्ळी वाठारांत रावपी खारवी लोका संदा रातचो पाव जाय पडटा. चडांत चड क्रिस्तांव खारवी रातचे जेवण जेवनात तांकां रातच्या पावा शिवा जायना हाका लागून पाव खूब गरजेचो.

**3. चपाती**

जशें क्रिस्तांव खारवी लोकाक रातचो पाव जाय पडटा तशेंच हिंदू खारवी लोकाक सकाळची चपाती जाय पडटा. ते नुस्तें घेवून आयल्या उपरांत सकाळच्या धाक सुमार चपाती खातात.

**4. शिरो**

शिरो हे लोक तूप, केळ्ळी घालून केनाय खावपा खातीर करतात. तशेंच हें लोक गणपती, महाशिवरात्रेक जितलो सदचे जेवनांत शिरो सत्य नारायण पूजेक म्हटा दवरून तितलोच तो प्रसाद म्हूण शिरो करतात.

**5. उपीट**

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत रावपी हिंदू खारवी लोकूच उपीट करतात. तें लोक रव्याचें उपीट करतात. तातूंत कोथबीर, सासवां घालून हें लोक उपीट करतात. चडशे ते सांजेच्या चायेक उपीट खावपाक करतात.

**6. चिकन**

चिकन हें पुराय संवसारांत लोक खातात. खारवी लोक चिकनाचे वेगळे वेगळे जिनस ते करतात. ह्या खारवी समाजाचे एक वेगळेपण म्हणल्यार गांवांत कोंबो सुधा ते घरांत मारिनात कारण जनावरांचें रगत सांडप तांचे खातीर श्रध्देच्या दृश्टा बरोबर न्हय देखून ते कोंबी कोणाय कडच्यान मारून घेतात. आनी मागीर ती रांदतात. लोक चिकन तंदुरी भाजरातल्यान हाडिनात तें घरातूच करतात आनी खातात.

**7. मास**

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांचे दोनूय हिंदू आनी खारवी समाजाचें लोक बोकडेचें मास खातात. तशेंच हें लोक कासव, हरण,सोसो आदी सारकीं जनावरांचें मटन खातात. तशेंच क्रिस्तांव खारवी गायेचें आनी दुकराचें मास खातात अशीं म्हायती गांवच्या लोका कडेन मेळटा.

**8. भाजीयो**

भाजी हीं खारवी लोकाच्या घरांनी शिवराक जेवन आसता तेन्नाच केल्ली दिसता. वा गणपती, शिवरात्र आसता तेन्नाच हें लोक सदा भाजी करतात. तें लोक मुळो, पालक, तांबडी, घोसाळें आदी सारक्यो भाज्यो करतात. तांका नुस्तें खावपाची आवड आशिल्ल्यान. आनी संस्कृतीक दृश्टीन तांचे अन्न शाकारी नाशिल्ल्यान ते लोक कमीच भाजी खातात.

**9. नेवऱ्यो**

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले हिंदू खारवी लोक चवथीक आनी दिवाळेक नेवऱ्या करतात जाल्यार क्रिस्तांव खारवी लोक नातलांक नेवरयो करतात. हिंदू खारवी जेन्ना आपलो सण आसल्यार क्रिस्तांव खारवी लोकाक दिता जाल्यार क्रिस्ताव खारवी लोक आपल्या सणाक हिंदू खारवी लोकाक नेवऱ्यो दितात. अशें तरेन तें एका मेका कडेन बरें रावतात.

10.**गोडशें**

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो जायतो खारवी लोक वेग वेगळें गोडशें करतात. चडशें तें गणपती, दिवाळी, महाशिवरात्र आसल्यार हो जिनस करतात. तांच्यानी केलें काय गोंडशे शेवयो, खीर, शिरो सारकें गोडशे हिंदू खारवी करतात जाल्यार क्रिस्ताव खारवी लोक दोश, दोदल सारके गोड पदार्थ नातलांक करतात.

11.**पातळ्यो**

पातळ्यो हें गोंयांत चडात चड लोक करतात. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांचो खारवी लोक हळडिच्या पानाचेर पातळ्यो करतात. तें पानाचेर सोय आऩी गोड घालून पानाचेर पीट घालून काय वेळ उकडूक दवरतात आनी उपरांत खातात. तशेंच हें 15 ऑगस्ट, 19 डिसेंबर सारक्या दिसा लेंगीत पातळ्यो करतात. तशेंच हिन्दू चवथीक आनी नागपंचीक पानांचेर करतात.

12. **फोव**

फोव हिंदू खारवी लोक दिवाळेक सकाळचें करतात. हें लोक फोवे दोन तरेचे करतात एक गोड आनी दुसरे तीक. गोड फोव तें गोडशें, दुध आनी इलिशी सोय घालून

करतात जाल्यार तिक फोव हें हळद, बटाट, मीट, शेगो घालून करतात. हें लोक सांजेच्या चायेक लेगीत फोव करतात.

13. **पुरण पोळी**

तांची मूळ संस्कृती ही उतर कोंकणांतली आशिल्ल्यान पुरण खंयच्या पुळेचो मुखेल जिनस जाल्लो दिसता. गुडी पाडवो, सुता पुनव, चवथेक ते पुरण करतात. पोळी ही हिंदू खारवी लोकूच करता.

14. **मोदक**

चवथ म्हळ्यार मोदक ताच्या शिवाय चवथ जाली कशी दिसना. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठांरतलो खारवी समाज चवथ सोडली जाल्यार आनी खंयच्या दिसा मोदक करनात अशी म्हायती गांवचे लोक दितात.

### 3.6 लोकवाद्यां

लोकवाद्यां हीं वाठारा प्रमाण आनी समाजा प्रमाण वेगवेगळे तरेचीं वाद्यां आसात. दर एक समाज आपले परी आपणायता आनी वापरतना दिश्टी पडटा. लोकवाद्यां हीं मनशाच्या जिणेत उमेद हाडपाक आसतात. तशेंच मनशाक मनोरंजन खूब आवडटा ताकाच लागून मनशान वेगळी वेगळीं लोकवाद्यां तयार केल्ली. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लेगीत जेन्ना तें राजापूर, पेंडणे आशिल्लें तेन्ना सावन ते ही लोकवाद्यां वाजोवपाक वापरतात अशी म्हाय्ती लोका कडेन मेळटा. लोकवाद्यां हीं वेगळ्या वेगळ्या सणो परबेक वापरतात. देखीक गणपती, शिगमो, आदी सारक्या परबेक वाजयतना दिश्टी पडटात. देवाची आरती करतना वेगळी वेगळी वादयां वापरपाची परंपरा संवसारभर वापरतना पळोवंक मेळटा. गोंयांत काय

समाज अशें आसात जे वाद्यां वाजयतात ताचेर कळटा की हो समाज खंयचो तो येता. सकयल हांवें खारवी समाज वापरतात तातूंतली काय वाद्यां माडल्यात.

**1. घुमट**

घुमट हें वेगळे वेगळे चांबड्याचें केल्लें आसता. घुमट हें आनी कोंकणी लोक संस्कृतायेंत भरसलें एक लोकवाद्य जे पुराय गोंयकारान राखून दवरले लोक वाद्य. घुमट खारवी लोक गोंयांत स्थायीक जाले उपरांत वापरपाक लागलें. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी लोक घुमट चवथीक वापरतात जाल्यार काय कडेन हें लोक कसल्या मनोरजन वा जेन्ना कोणाच्या घरा कडेन सत्यनारयनंची पुजा आसता तेन्ना वापरतात. घुमट हें कोंकणी लोककूच वापरतात पूण आता आता गोंयां भायले लोक वापरूंक लागल्यात.

**2. तबलों**

तबलां हे आकारान अंड्याचा आकाराचें आसता. तें गायेच्या चामड्या पासून करतात. तबला हो बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी लोक गोंयात येवपा पयली सावन तबलों वापरतात अशें गांवचें लोक म्हायती दितात. तबल्याचो वापर पुराय गोंयांत शिगम्याच्या दिसान चड प्रमाण जाता तशेंच बेतुल वाठारांत खारवी लोकाचो महाशिवरात्रेक उत्सव जाता तेन्ना तबल्याचो वापर चड प्रमाण करतात.

**3. पेटी**

पेटी ही खारवी लोकांचे आनीक एक म्हत्वाचे लोकवाद्य. जेन्ना हे लोक गोंयांत येवून स्थायीक जाले तेन्ना सावन तांकां पेटी म्हणल्यार किते तें कळ्ळें. तांचे पुर्वज लोक ही वाजयतना पळयतगीर तांकां पेटी ही कितें तें कळून आयलें अशें

म्हायती गांवच्या लोकां कडेन मेळ्ळी. पेटी ही खारवी लोक देवळांत कितेय आसलें वा एकादस आसली जाल्यार देवळात भजन आनी आरती करपाक पेटीचो वापर करतात.

**4. शामेळ**

शामेळ हें वाद्य खारवी लोक गोंयांत येवन स्थायीक जाले उपरांत वापरून लोकवाद्य वापरपाक लागले अशे लोका कडेन म्हायती मेळटा. शामेळ हें लोकवाद्य गोंयकाराचें एक दायज जशें गोंयकांराक घुमट जितले म्हत्वाचे तितलेच शामेळ हें गोंयकाराचें म्हत्वाचे लोक वाद्य. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी लोक शामेळ गणपतिची आरती करतना वापरतात.

**5. दवले**

दवले हें खारवी लोकाचें आनीक एक म्हत्वाचे लोकवाद्य. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो जाणटे खारवी लोक दवले वाजून फुगडी घालताले अशें गावचें लोक म्हाय्ती दितात. हें दवले लोक शीत रांदपाक वापरतात तेच दवले वाजोवन गांवचे जाण्टे फुगडी घालताले.

### 3.7 लोकनाच

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांचे दोन मुखेल लोकनाच आसात तें म्हणल्यार फुगडी आनी शिगमो. ह्या लोकनाचाक लागून ह्या वाठारांची लोकसंस्कृताय आजून मेरेन

तिगून आसा. फुगडी आनी शिगमो हें नाच हें लोक महाशिवरात्रेक, गणपतीक, वा हेर कसल्या कार्यावळीक घालतात. ह्या समाजान ह्या दोनूय लोकनाच वयल्यान आपलें दायज दवरला.

**1. फुगडी**

फुगडी नाच हो एक चोमो नाच. हातूंत पांयां वांगडा कमराच्योय हालचाली जातात. फुगडी नाचाक कसलोच वाद्याचो वापर जायना ह्या लोक नाचाक फक्त हांताच्या ताळ्यांचे आनी पांयाचो वापर जाता. पूण बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक दवले हें लोकवाद्याचो वापर करून फुगडी घालतात. तशेंच बायलो गितांचो सूर मेळयत मेळयत चडटे गतीन नाचूक लागतात. नाचता नाचता केन्ना बायलेचेर भार येता तेन्ना तांकां फुगडी लागली अशी बायलां म्हणटात दिश्टी पडटा अशें गांवची बायला सागतात. ह्या दोनूय वाठारांत मेळटा ह्यो म्हणल्यार चवथीक आनी महाशिवरात्रेक आमका पळोवक मेळटा. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्यो खारवी बायलो वेग वेगळे फुगडी घालतना दिश्टी पडटात. तातूंतल्योच काय फुगडीचे प्रकार म्हणल्यार.

**सादी फुगडी-** खारवी बायल दवले घेवन ही फुगडी घालता. चडशी ही फुगडी बायला कसल्या कार्यवळीक वा उत्सवाक घालतना दिश्टी पडटा. ही फुगडी घालतना दवलो हो खूब म्हत्वाचो आसता. खंयच्या लोक नाचाक वाद्याचो वापर जायना पूण ह्या फुगडेक खारवी लोक दवले ह्या लोकवाद्याचो वापर करतात अशें गावचे दादले म्हायती दितना आमका मेळटात. [5](सुसमीशा जोशी)

**धालो फुगडी-** जशें दोन रेंगो करून धालो नाचतात तेच भशेन बायलां ही फुगडी नाचतात. खारवी लोक ही फुगडी शिगम्यां दिसांनी घालतात. लोक धालोक जसो धालो नाच नाचतात तशें आमका बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक चवथीक, महाशिवरात्रेक धालो फुगडी घालतना पळोवक मेळटा. ही फुगडी खूब कमी लोक घालतात.

**कळशी फुगडी,ताब्यो फुगडी-** ही फुगडी आमका गोंयांत कळशी घेवन नाचतना दिश्टी पडटा. पूण बेतुल आनी वेळ्ळी खारवी समाजाचो लोक ही फुगडी तांब्यो घेवन नाचतात हाका लागून तांब्यो फुगडी अशें म्हणटात. ही फुगडी तें राजपूर आसतना सावुन घालतात तीच प्रथा तें गोंयांत येवन सूदा ताब्यो घेवुन फुगडी घालपची ताच्यानी मुखार घेवन गेले.

**2. शिगमो**

शिगम्याचो लोक नाच हो पुराय गोंयांत जाता तों आमका पळोवंक मेळटा. शिगमो हो गोंयच्या एकान एक वाठारांत व्हड उमेदीन जाता. पुराय गोंयचो समाज शिगमो केन्ना येतलो हांची वाट पळयत आसता. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी लोकाचो शिगमो तें महाशिवरात्रेक घालतात. हों शिगम्याचो नाच तें देवळाच्या मुखार माडार घालतात. ह्या लोकनाचाक दादले तशें बायला वाटेकार जातात. शिगम्याच्या उपरांत त्याच दिसा महादेवाच्या देवळा मुखार नाटक जाता अशी म्हायती स्थानीक लोका कडेन मेळटा. शिगम्याक वेग वेगळी लोकवाद्यां वाजोवपाक वापरतात. तशेंच बायलां आनी दादले वेगळी वेगळी

शिगम्याचीं गितां म्हणटात. अशें तरेन बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो शिगम्याचो लोकनाच जाता.

### 3.8 लोकगितां

खंयचोय समाज घेतलो जाल्यार त्या समाजांत आपली अशी कांय लोकगितां आसतात. हाकाच लागून ही लोकगिता त्या त्या समाजाक वेगळे करता. लोकगितांवयल्यान आमका त्या समाजाचो पुराय इतिहास कितें त्या समाजाचो कुशीक आशिल्या गांवचो संबद कितें आसा तो कळत नकळत कळटा. हाकाच लागून लोकगितां संस्कृतीक अभ्यासा खातीर खूब म्हत्वाचीं थारता. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्या लोकांमदीय अशेंच तरेचीं लोकगितां घोळटात. जशें आमी लोकगिताक गिता अशें म्हणटात बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक गिताक हमोनी अशें म्हण्टात. देखीक- कवीन जर कविता बरयली जाल्यार ती कविता तशेंच नुस्तेंकारान जाळ वयर काडपाक आपली अशी काय हमोनी तयार केल्यात. तातूंतलीं कांय सकयल दिल्यांत.

1. आमी खारवी रें आमी खारवी रें

आमी बेतुलचें खारवी रें खारवी रें

आमी नुस्तें मारी खारवी रें.....

हें गित खारवी लोक जेन्ना नुसत्याक वतात तेना आप आपल्या भितर एक मजा आनी नुस्तें घरपाची येवची म्हण आनी उर्ब खातीर म्हणटात.

2. हें खारवी खंयचे रें

हें खारवी खंयचे रें

आमी खारवी गोंयचें रें

आमी खारवी गोंयचें रें.....

हें गित तें एका मेका कडेन नुस्ते धरपाक वतात तेंन्ना म्हणटात. एकटो एक वाटेंच्यान तुमी खंयचे म्हूण विचारता जाल्यार दुसरो ताच्या प्रस्नाक जाप दितना दिश्टी पडटा अशें तरेन हें लोक गित म्हणटात.

3. हयले लें जुबे बया

हयले लें जुबे बया

जुबेलानी जुबे बया

ही हमोनी जेन्ना रापन घालून काडपाक वतात तेन्ना म्हणटात. ही हमोनी मनपा फाटलें कारण म्हण्यार जेन्ना नुस्तें जाळ्याक आसलें जाल्यार तें बेगीन बेगीन काडपाक येता हाका लागून जाळे बेगीन येवपाक तें ही हमोनी म्हणटात.

4. शालुंचे रंगीले गुळे

शालु बाय झवना हात लावु दिना

शालुंचे रंगीले गुळे

शालु बाय झवना हात लावु दिना...

जेन्ना दादलेंच जेन्ना नुस्त्याची जाळ वयर काडपाक वतात तेन्ना ही हमोनी तें म्हणटात. जेन्ना जाळ्याक चड नुस्तें लागतात तेन्ना तें जाळे बेगीनी भायर येवपाक आनी नुस्तेंकारा भितर उमेद निर्मान जावपाक म्हणटात.

5. एक दोन तीन चार

दर्या राजाचो जय जय कार.

जेन्ना गणपती विसरजन करपाक वतात तेन्ना एक दोन तीन चार गणपतीचा जय जय कार म्हणटात तशेंच खारवी लोक जर नुस्तें चड मेळ्यार दर्या राजान ताकां नुस्तें दिल्ले म्हूण तें हें गित म्हणटात.

6. हय ले सा जाम ले सा

हय ले सा जाम ले सा

ही हमोनी तें पयली सवकास म्हणटात. जशें जशें ताकां नुस्तें जाळेक चड लागलें दिसतात तशें तशें ताचों म्हणपाचो नेट वाडटा.

**शिगम्याची गिता**

1. असें आड गें सिते साडी पाठ खेळूं बैसली

असें आड गें सिते साडी पाठ खेळूं बैसली

असें न्हावलीं दुवली गें गौरेन आगोळी केली (2)

असें सोवळे सोडून गौरेंन पितांभर न्हेंसली (2)

असें सुर्वनाच्या ताटान गौरेन हात बरल्या (2)

असें आरत हाडली बायें आसवंत

घर दार हायें सयें सासवंत

असें काजुचें काकना बले लक्ष्मण

गळ्यातलें पिदूकें आयापण.....

शिगमो आसता तेन्ना ही आरत तुळशी कडेन धोल वाजोवन म्हणटात. ही आरत म्हणल्या उपरांत शिगम्याची सुरवात जाता. तांचे लोक ही आरत म्हणून जातगीर शिगमो चालू जालो अशें मानतात.

1. चाणयेच्या पोराक तीन पाट्ट

रावणाने सिताला दे दाखय वाट.....

शिगमो भायर काडटा वयता तेन्ना हें गीत म्हणटात. हें गीत म्हणून शिगम्याक भायर काडटात अशें सांगतात .

असे हसतिनापुर नगगरात पांडव राज्य करी बा

2.आणि पांडवाच्या राज्या रे कली पावल्या बा

आणि कलीच्या पायान पांडव गेले वनवसा बा

आणि वनवासा जाता वेळ्ळी सूर्य मावळलो बा

आणि सुर्य मावळलो तेथे काळोख जालो बा

आणि तीथेच धर्मान काय हों केले बा

आणि कड्डाची केली शेस भाजारे धर्मान

गुण्याचे केली वणखण म्हू.....

हो चौरंग बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारातलो खारवी समाजाचो ना. तें जेन्ना गोंयात येवुन स्थायीक जाले तेन्ना सावन खारवी समाजाची बायला हो चौरंग म्हणूक लागलें अशी म्हायती गांवचे लोक दितात. हो चौरंग तें शिगम्याक घालतात. तशेंच ते हो चौरंग महाशिवरात्रेक उत्सव जाता तेन्ना म्हणटात.

2. ईक्ष्वर पार्वती गाईचे घोटण खेळ मांडिल चार पाट रे देवानी,

खेळ मांडिल चार पाट मु...

चंदनाची केली चार पगा रे देवानी, चंदनाची केली चार पागा मु

रूपेवंत केले चार पाचे रे देवानी, रूपेवंत केले चार पाचे मु

तांबवेत केली शेळीये रे देवानी, तांबवेत केली शेळीये मु

ईक्ष्वरानी पाचे मांडियालो रे स्वामी तू, ,पार्वतीन शेळीयो थारीयील्यो मु

खेळ मांडिल चार पाट रे देवानी, खेळ मांडिल चार पाट मु

ईक्ष्वरा पडली बारा रे स्वामी तू, पार्वतीक पडली सोहळा मु

देवीन देवा हारायिलो रे स्वामी तू, देवीन देवा हारायिलो मु

देव येयले उणेपण रे स्वामी तू, देव येयले उणेपण मु

पाचे टाकले वनाक रे देवानी, शेळीयो टाकल्यो साळाक मु

पोगा उडयले सागराक रे देवानी, पोगा उडयले सागराक मु

उठले देव स्वामी रागान गेले बा, उठले देव स्वामी रागान गेले

गिरी पर्वतार देव चालोन गेले बा, गिरी पर्वतार देव चालोन गेले

आसांड मांडी देव घालो लागले बा, आसांड मांडी देव घालो लागले

मांड्याक विसपालले देवाच्यो, मांड्याक विसपालले मु

झाडा झटा बेलल्यो देवाच्यो, झाडा झटा बेलल्यो मु

म्हसतोंगे राणी आडायील्यो देवाच्यो, म्हसतोंगे राणी आडायील्यो मु

देवी देवा सोधिता गे पार्वते, देवी देवा सोधिता मु

घर दार सोधिता गे पार्वते, घर दार सोधिता मु

देऊळ धुपे सोधिता गे पार्वते, देऊळ धुपे सोधिता मु

गावं गावटण सोधिता गे पार्वते, गावं गावटण सोधिता मु

रान वन सोधिता गे पार्वते, रान वन सोधिता मु

गाळे मुळे सोधिता गे पार्वते, सीमो दार सोधिता मु

गिरी पर्वतार देवी चलोन गेले बा, गिरी पर्वतार देवी चलोन गेले

हिरांग नागडे ते नाचो लागले बा, हिरांग नागडे ते नाचो लागले

खतखत देव ते हासू लागले बा, खतखत देव ते हासू लागले

देव मण नकळो येसू मण नकळो शिरेन भरतार ओळख केलो बा,

शिरेन भरतार ओळख केलो

उठाय उठाय देवातो हात घायलो झटये बा

उठाय उठाय देवातो हात घायलो झटये

म्हुसतोंगे राणी खोसळल्यो देवाच्यो, म्हुसतोंगे राणी खोसळल्यो

झाटा झटा सुटल्यो देवाच्यो, झाटा झटा सुटल्यो मु

मांड्याच्यो विस सुटल्यो देवाच्यो, मांड्याच्यो विस सुटल्यो मु...

हो चौरंग लेगीत बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी समाजाचो न्हय. वाठारांत जय खारवी समाज रावता त्या वाठारांत महादेवाचे देवुळ आसा त्याच देवळाच्या माडांर शिगमो जाता हाका लागून महादेवाचो हो चौरंग देवळा मुखार गायतात हें आमका त्या गांवचे स्थायीक लोक म्हाय्ती दितात. हो चौरंग थोडकेच बायला गायतना दिश्टी पडटा.

**गणपती फुगडी**

**1.** श्री गणेशा गणराय, हे पयले नमन करते तुला

हे पयले नमन करते तुला

देवांच्या पुजेआधी हा पयला मान देते तुला

हा पयला मान देते तुला

शमी, दुर्वा, जास्वंदी आनी मोदक, नेवरयो

देते तुला मी, मोदक, नेवरयो देते तुला

श्री गणेशा गणराया, हे पयले नमन करते त्ला

हे पयले नमन करते तुला.

हिंदू समाजांत जेन्ना खंयच्या देवाची पुजा वा किते करतात जाल्यार सगळ्यात पयली पुजा गणपतिची करतात. देखीक जेन्ना कोणूय सत्यनारायणाची पुजा करता तेन्ना पुजारी संगळ्यात पयली गणपतिची पुजा करता. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक गोंयात पावले तेन्ना सावन हें लोक चवथीक ही फुगडी गणपतिच्या मुखार गालतात. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत आमका तांची स्वताची अशी गायली फुगडी मेळना पुण समाजान ज्यो फुगड्यो घालून आमची संस्कृताय फुडें घेवुन गेल्यात तशेंच आमका बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक ही फुगडी घालून तांच्यानी तांची संस्कृताय मुखार व्हेली दिश्टी पडटा.

2. गणपती देवा करीन तुझी सेवा नवस करीन रे...
पांच फुलांनी पांच फळांनी दुर्वा वाहीन रे...
गळ्यातला मणी दे जन्मभर हेची माझे मागणे रे...
हातातली काकणां दे जन्मभर हेची माझे मागणे रे...
पायातले वेडे दे जन्मभर हेची माझे मागणे रे...
कपळाचा कुंकू दे जन्मभर हेची माझे मागणे रे...
गणपती देवा करीन तुझी सेवा नवस करीन रे...

गोंयात ही फुगडी खुब उमेदीन घातली पळोवक मेळटा. तशेंच आमका ही फुगडी खुब कडेन चवथीक लोक घरानी घालतना दिश्टी पडटात. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत ताच्यां लोका कडेन आपली अशी फुगडी ना हाका लागून गोंयात जी

फुगडी घालतात तीच फुगडी हो समाज घालता अशें गावचें लोका कडेन म्हायती मेळटा. हें फुगडे भितर आमका गणपती मुखार फुगडी घालून मागणे करतना दिश्टी पडटात. गणपती मुखार जे किते मागणे आसा तें फुगडीच्या गितान फुगडी घालून मागतात.

3. गणपती पुत्र पार्वतेचा, जातो गगे पाणीयाला

पाणी लागले भांग, जाउनी विठोबाला सांग

दोन तडी भरल्या गगा, कैसा येऊ पांडुरंगा

गणपती पुत्र पार्वतेचा, जातो गगे पाणीयाला

चार बाजूंनी चार केळी, समई लाविल्या दोन

चौरंगीच्या मध्ये बैसला नारायण थोर

ढम् ढम् ढम् ढम् वाजे डमरू, नाचे सदाशिव जगतगुरू

शंकराचा डमरू वाजे पतीत पावन सिताराम

नारदाची वीणा बोले, रघुपती राघव राजाराम

मारूतीचा रथ चाले जय राम क्षीराम जयजय राम

ही फुगडी जेन्ना लोक गणपती सोडटात तेन्ना म्हणटात. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक गोंयात स्थायीक जावपा पयली सावन ही फुगडी म्हणटाले उपरांत तें गोंयात स्थायीक जाले तेन्ना लेगीत ताच्यानी ही फुगडी गणपती सोडटात

तेन्ना म्हणूक सोडली ना अशे म्हायती तांच्या कडे मेळटा. ही फुगडी पुराय गोंयात घालतना दिश्टी पडटा.

**धालो गिता**

**1.** पेटयले दिये थेईले माणार गावांच्या देवांग सांगा गे फाता

गावाचे देव येता मुणोन माणार दिये जळती गे

हाडिल्ले नारळ ओतिले माणार केली पाच वोळीं गे, केली पांच ओळी गे

नाल्ल फोडुनी शिरनी करूनी वाटिली तुळसा बिल्लावणी गे,

वाटिली तुळसा बिल्लावणी गे

वाटिली जाल्यार बरें जालें एकामेकांक मेळा गे, फाता धरून खेळा गे

कुकमाचे तिळे गधाचे तिपे लाईले सवाशीणींग गे लाईले सवाशीणींग गे

खारवी समाजा कडेन आपल्यो अश्यों फुगडी गिता ना. हें लोक गोंयात येवुन स्थायीक जाले तेन्ना सावन तांचे जाण्टे ही फुगडी म्हणूक लागले अशी म्हायती तांचे कडल्यान मेळी. ही फुगडी तें महाशिवरात्रेक देवळा मुखार दिवो लावन नाल्ल फोडटना घुमट वाजोवन म्हणटात.

**संदर्भ**

**मुलाखत**

1. विकास जाधव,वय 33, ता. 3 फ्रेबुरवारी 2024,राजापूर, महाराष्ट्र

2. दिनू जोशी, वय 62, ता. 25 दिसेंबर 2023, वेळ्ळी, गोंय.

3. रवि जाधव, वय 35, ता. 25 फ्रेबुरवारी 2024, राजापूर,महाराष्ट्र

4. गोंविद तारी, वय 40, ता 1 मार्च 2024, बेतुल, गोंय

5. सुसमीशा जोशी, वय 49, ता 2 मार्च 2024,बेतुल, गोंय


**वेबसायटस**


- https://www.merriam-webster.com/dictionary/god

# प्रकरण- 04

1.1 आवतांची उतरावळ

1.2 नुस्त्यांची उतरावळ

1.3 वेवसायीक उतरावळ

1.4 म्हणी

1.5 हेर उतरावळ

## 4. समाजाची भाशाशैली आनी उतरावळ

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी समाजाचे लोक जें बेतुल गांवच्या तारीवाडो आनी वेळ्ळी गांव्या रंगगालिम आनी बापसोरा गावांत स्थायीक जाल्यात तें राजापूर, रतनागिरी आनी पेडणें वाठारांतल्यान येवुन स्थायीक जाल्यात. तशेंच ताचीं भास ही मालवणी आनी पेडणें वाठारांची मेळून  तयार जाल्या. हें लोक जेन्ना राजापुर, रंगगालिम रावताले तेन्ना तें मालवणी उलयताले जाल्यार जें कोण पेडणें रावतालो तें पेडणें बोलयेंत उलोवंक लागलें.

गोंयात जेन्ना तें लागून स्थायीक जाले तेना सावन तांच्यानी नुस्तेंमारी वेवसाय सुरू केलो. तशेंच तांची भास ही पेडणें आनी मालवणी बोली मिश्रीत तयार जाली. जेना हे लोक ऐकामेकां कडेन संवाद सादतात वा तांच्या भितर उलयता उतरां भितर कळटा ही भास मालवणी आनी पेडणें बोलयेंतल्यान तयार जाली आसा. ही म्हायती स्थानीक गांवचे लोक ताच्या भाशें विशी दितना दिश्टी पडटात.

### 4.1 नुस्तीं आनी नुस्तेंविशींची उतरावळ

#### न्हंयत/खांडींत मेळपी नुस्तीं

**बुराटे/आटे**- हें नुस्तें पावस नपडटा तेन्नांच मेळटा. जेन्ना पावसां दिसांनी दर्याच नुस्तें मेळना तेन्ना ह्या नुसत्याक चड खपं आसता. ताका खूब काटें आसतात.

**गरणकाशें**- ह्या नुसत्याक तीन पट आसतात. चाणेक जशें आमका फाटीर तीन पट पळोवंक मेळटा तशें ह्या नुसत्याक ती पट आसतात.

**चरबटें-** हें नुस्तें खूब ल्हान आसता.

**शेतकां**- हें नुस्तें चरबटें भशेंन आसता पूण हें आकारान खूब व्हडलें आसता. दोगायंचीं जात पळोवपाक एकूच आसता.

**शागटा/सांगटां**- खारवी लोक ह्या नुसत्याक शांगटा अशें म्हणटात. तशेंच ह्या नुसत्याक काटें चड आसतात.

**लेप/लेंपो**- लेपो हें जशें दर्यांत मेळटात तशेंच न्हंयत मेळटात पूण न्हंयत मेळपी लेंपो चड व्हड आ

सतात.

**मुंडशे/मुरदोश्यो**- खारवी समाज ताका मुंडशे अशें म्हणटात. तें खूब बारीक आसतात.

**पालो/पालू**- पालो हें काळें आसता. ते खावपाक खूब रूचीक आसता.

**गुरपालो**- गुर पालो हो पालो भशेंन आसता पूण पळोवपाक लांब आसता. हो पळोवक धवो आसता.

**चाबाटों**- न्हंयत मेळपी चाबाटों हो ल्हान आसता पूण दर्यांत मेळपी हो व्हडलो आसता.

**शेंवटे**- शेंवटे हें असले तरेचें नुस्तें जे आमका शेळ्याक लागून मेळटा.

**पेडयें/पेडवें**- खारवी लोक तांकां पेंडयें अशें म्हणटात. हें नुस्तें तारल्या भांशेन आसता तशेंच मातशें रूंद आसता. हें नुस्तें ऑगस्ट, स्पटेंबर आनी ऑक्टबर सोडून खंयच्याच म्हयन्यांत मेळना.

**खडचें/खरच्यों,खरची**- खारवी लोक ह्या नुसत्याक खडचें अशे म्हणटात.

**काळय/काळ**- जशें प्रमाण कोंकणीत आमी तांकां काळ म्हणटात तशें ताकां खारवी काळय म्हणटात.

**केर/केरये**- केरये ही रूंद आसता. तशेंच ताका काटे चड आसतात.

**केरगुण**- केरगुण ही रूंद आसता तशेंच पळोवंक रावंसा भशेंन दिसता.

**किरापोको/किरापेरी**- किरा पोको हो वेग वेगळ्या रंगा भशेंन दिसता. तो चड शायन जाता. पाचवो आनी कोंकी आसता.

**कोकरां**- कोकरां ही खाडयेंत मेळटात तशीं दर्यांत मेळटा

**दर्यांत मेळपी नुस्तीं**

**इसवण/कुलकुला**- इसवण हो लांबट कसो आसता. तसोंच तो रूंद आसता.

**मोरेयोशिलो/मोरी-** मोरयो शिलो दोन भशेंन आसता. एकट्याक कानाच्यो मोरी म्हणटात जाल्यार एकट्याक माटो मोरी म्हणटात. कानाच्यो मोरी ताका दोन कान आसतात म्हण कानाच्यो मोरी म्हणटात. माटो मोरी ही ल्हान आसता. आनी व्हडली आसता ताका मोरी म्हणटात.

**सोलगां-** सोलगां नुस्तें हें शेतका भशेंन आसता.

**खांपी-** खांपी रूंद आसता आनी पळोवक धवी आसता.

**लालमी-** लालमी ही पेडी भशेन आसता आनी तोंडान लामट आसता.

**कुशीर पेड-** खूब काटे आसतात म्हूण ताका कुशीर पेड म्हणटात.

**भोमला/पेड-** भोमला पेड रूंद आसता आनी पळोवंक हळदुव्याव रंगा भशेन दिसता.

**सरंगो/पापलेट-** मराठीन ताका हालवो म्हण्टात. कोंकणींत ताका पापलेंट म्हणटात.

**पितोशी-** पितोशी ही ल्हान आसता.

**दामणे पिट-** खारवी लोक पापलेटाचें तीन प्रकार आसात म्हण्टात तातूंतलोच एक पापलेटाचो प्रकार म्हणल्यार दामणे पीटो. तो (Grey) रंगाचो आसता आनी ताका ल्हाळ चड येना.

**लाळ्या पिटे-** हो आनीक एक पापलेटाचो प्रकार. ल्हान आसता ताका लाळ्या पिटो म्हणटात. तशेंच ताका ल्हाळ ही चड येता. हाका लागून ताका लाळये पिटे म्हणटात म्हूण खारवी लोक सागतात.

**तोणके-** तोणके हें तारल्या भशेन आसतात. तोणके बारिकुच आसता चड व्हड जायना.

**बांगडे/तोणके-** बांगडो तोणके हें बांगड्या भशेन दिसता. तशेंच बागड्या तोणक्याचें दोळे मोटे आसतात.

**झार-** झार आसा ताका खाज पडटा. केसा भशेन लांब वाल आसता. एक झाराचीं वाल तीन तें चार मीटर आसता. वालेक हात लायलो जाल्यार खाज पडटा, फोड येता हांका लागून जर थांबोवपाक एक तर शेण वापरप वा कोलगेट वापरप.

**बेलकांडो-** बेलकांड्याक वाल ही खूब ल्हान सुमार तीन चार इंच आसता. जशें झाराक खाज पडटा तशें बेलकाड्याक पडना.

**येली-** प्रमाण कोंकणींत येलीक वेल्ली अशें म्हणटात. ती पळोवक रूंद कशी दिसता.

**मोतयाळीं-** मोतयाळीं ही खूब बारीक आसतात. पळोवपाक एक तें तीन इंच आसता.

**तोळये-** तोळये ही खूब लांब आसता. ताच्या तोडाक नळी अशी आकारान ती आसता. ती स तें सात इंच आसता.

**तोळ-** तोळ ही खुब व्हडली आसता म्हूण ताका तोळ अशें म्हण्टात. तांचे तीन प्रकार आसात तोळ, तोळी आनी तोळये.

**खापी-** खापी ही पळोवंक रूंद आसता. आनी ताचो रंग धवो कसो आसता.

**कोमले/खापी-** कोमले खापी ही व्हड आसता. ती आमका दर्या भितर सोडून दर्या भायर तडीर मेळटात.

**शील-** शील ही पापलेटां भशेंन आसता. पळोवक हळदुव्या रंगाची  आसता.

**चांबाटो-** चांबाटो ह्या नुस्तयाक शेपडे कडेन एक काळो गोल कसो आसता. आनी पळोवक हळदुवो कसो आसता.

**तांबसो**- तांबसो हो तांबडो कसो आसता आनी मोटो आसता.

**ताल्लें-** ताल्लें हें बारीक आसतात आनी ताका बारीक बारीक काटे आसतात.

**बांगडे-** बांगडे हे दोन तरेंच आसतात बारीक जो बांगडो आसा ताका बांगडुली अशेंय म्हणटात

**सुंगटा-** सुंगटा ही न्हंयत मेळटात तशीं दर्यांत लेगीत मेळटात.

**कुल्लीं-** कुल्लीं ही धा पायाचीं आसता. ताका धरपाक म्हूण लोक कुबुल्यांचो वापर करतात. खावपाक लेंगीत कुल्ली खूब रूचीक आसता.

**कल्ली/कल्लें-** कल्लेंक लेगीत खूब काटे आसतात. ताची हुमन सगळ्यांत बरों लागता.

## 4.2 आवतांचीं उतरावळ

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी समाजांतली म्हत्वाची अवताची उतरां सकयल दिल्यात. हेंच आंवतानी तें वेग वेगळे तरेंचीं नुस्तें धरून आपलें आनी लोकाचें पोट भरतात.

**झाळ/जाळ**- जाळ खारवी हाका झाळ म्हणटात. जाळ खारवी समाजाच्या ही खारवी समाजाच्या जिवनात खूब म्हत्वाचीं. नुस्तें काडपाच्या जाळाक लागून खारवी लोक आपलें पोट भरतात अशें म्हायती तें दितात. जाळे ही तीन तरेचीं आसात कॉटन, नायलन, ,कुलन. कॉटन हें खारवी लोकाचे पयलीचे जाण्टे वापरतले आनी हें जाळें ते लोक हातीर विणटाले पूण आता ते जाळें कोण वापरनात. नायलन हो जाळ्याचो

दुसरो प्रकार कुलनाचें जाळें बंद जातगीर खारवी लोक नायलनचें जाळें वापरूक लागलें. जसो जसो काळ बदलत गेलो तशें तशें नायलनच्या प्रकारां भितर तीन चार जाळें मेळूक लागलें. आता कुलनाचें झाळे वापरतात तशेंच आता बाजारांत जितले वेगळ्या वेगळ्या तरेचें जाळें मेळटात. देखीक जर आमका बांगडें दरपाक जाय जाल्यार बांगड्याचे जाळ आमका बाजारांत मेळटा.

**लाटन-** लाटन हें पयलीच्या काळार बॅटरी नाशिल्ली म्हूण खारवी लोक लाटनाचो वापर जाळेंच वापरप करताले. लाटना भितर दिवो पेटयताले आनी ज्या जाग्यार झाळ घातलां थंय सोडटाले. देखीक जर वेळ्ळी वाठाराच्या रंगगालिम वाड्यांत जाळे घालून लाटन सोडलां जाल्यार तें कळपाक जाय म्हूण तें आलतडी बेतुल वाठारांच्या तारी वाडो गांवांत लेगीत लाटन सोडटाले हाका लागून ताकां खंय जाळे घातला तें कळटालें. हाका लागून खारवी लोकाक लाटन म्हत्वाचो आसलो अशी म्हायती मेळटा.

**शेंवता-** जेन्ना जाळें उदकांत घालतात तेन्ना त्या जाग्यार शेवता लायतात. तशेंच 100-100 मीटराचेंर आनीक शेंवता लायतात. हें लावपा फाटलें कारण म्हणल्यार तेन्ना बॅटरी नासली आनी तांकां रातीन कळ नासलें म्हूण हें लोक शेंवता लायताले.

**लाकडाचें भुयें-** आदल्या काळार खारवी लोक लाकडाचें भुयें तयार करून बादताले. तें भुयें 6 inch एक बडी कशी आसली आनी 2 inch रूंद एक बुराक आसतालो आनी ताका जाळ दोरी घेवून बादतालें. आता प्लास्टीक भुयें आयल्यात अशें म्हायती खारवी लोका कडेन मेळटा.

**व्हडी-** आदी लोक व्हडी घेवून नुस्तें मारूक वताले. पूण आताचे खारवी पाती घेवून नुस्त्यांक वतात. व्हडी ही लाकडांची आसता. ती आंब्या झाडाची आसताली. 20-22 फूट तयार करप मागीर ताका फळ घेवून व्हड करप आसतालें. 4-5 लोक ह्या व्हड्यांत बसूंक शकताले.

**उलाडी-** उलाडी ही खारवी लोकाक आनीक एक म्हत्वाचें. उलाडी ही व्हडीयेक बांदपाचीं आसता. जाका लागून व्हडयेचो तोल उरता.

**बायकना-** बायकना म्हणल्यार दोन लाकडां व्हडीक भादतालें.

**फळी-** फळी ही बायकनाक बादतालें. कारण व्हडी पडत म्हूण ताका आदार म्हूण फळी बादताले. पयली रातचें नुस्त्याक व्हड्यानी 5-6 लोक वतालें तेन्ना एक एकलो ह्या फळयेचेर न्हिदतालो. फळी 6 inch आसताली. तातूंर खारवी लोक न्हिदतालें.

**शेलणे-** शेलणे हें लाकडाचें तयार करतात. हें आयदन खारवी लोक उदक काडपाक वापरतात तशेंच आताचे लोक प्लास्टीक आयदनां वापरतात. आदल्या काळार नुस्तें सुदा शेलणेन घालून हाडटाले तशेंच नुस्त्याचें वाटे लेगीत हें लोक शेलणेंत करतात.

**ओली-** ओली ही ल्हान आसता आता ताचो उपेग खारवी समाज करिनात. ओली ही गरज पडल्यारूच वापरतात. आता गीयर, रीवस आदी हाचो वापर जाता. पयली इंजीन नासलें म्हूण ओलयेचो वापर जातालो.

**बोटी/पाती-** ही 40 मीटर आसतात. ती लोखनाची तयार केल्ली आसता. पाती 12-15 मीटर आसता. बोटीन ही खुब पयस वतात. देखीक बोट गोंय सावन मुंबई वता. पाती ही हांगाच्यान पणजी वतना वापरनात. बोटी ही खूब पयस वचून नुस्तें हाडूंक शकता. बोट ही पदरां दीस रावपाची वेवस्था करता. कमीत कमी चाळीस लोक वतात इतली वेवस्था करून वतात. पाती ही थोडीच वेवस्था करून वता. पातीन 12-16 लोक वचूंक शकतात. पाती ही धालेगीत आसता. सदचो नुस्तेंकार ही वापरतात पुण तातूंत सदाच नुस्तें मेळत आसत नासता ते भायर मोठें नुस्तेंय मेळना.

**गरोणी/गराटी-** गराटी ही आदल्या काळाचे खारवी लोक कोड्याचे करतालें. पुण आता थोडेंच लोक कोड्याची गराटी घेवून गरयता. आता प्लास्टीकचें वापरतात तशेंच खारवी लोक गराटी प्लास्टीकची वापरतात.

**लांबारी/तावस-** आदल्या काळार खारवी लोक तांवसान लेगीत गरयताले. व्हड तास सोणाक जावं लाकडाच्या तुकड्याक वेवस्थीत बांदताले आनी ताका सुरवेक गरय तांवस लावन नुस्तें धरताले. तें प्रमाण आदी लोक त्वास नालाचे सोणांक घुटलायतालें कारण आदी थरमाकॉल नासलो. आता हें खारवी जाय ताका घुटलयतात.

**कोबली-** कोबली ही कुल्ले काडपाक वपरतात. कुल्लें काडपाक ताका मेल्लें नुस्तें वा गायडोळ बादप आनी खाडयेन सोडप आसता. अशें तरेंन काय वेळा उपरात कुल्ली लागली का पळोवप.

**पागेर -** पागेराक शेणी म्हणटात. पागेर हो नुस्तें मारपी खारवी लोकाक खूब म्हत्वाचो आसा. पावसळ्यांत ताचो चड उपेग जाता. हांचो उपेग बारीक नुस्तें धरपाक वापरतात. 90%  नुस्तेंकार हें वापरतात. ताका खारवी लोक एक पारपारीक नेट अशें म्हणटात.

## 4.3 म्हणी

सदच्या जिवनात जर आमी पळयत जाल्यार दर एक समाजांची वा वाठारांच्यो आपल्यो अश्यो काय म्हणी आसतात. जें मनीस सदच्या जिवनात एका मेका कडेन उलयतना वा कसलोय वेवसाय करतात तेन्ना वापरतात. बेतुल आनी वेळ्ळी रावपी खारवी समाजाच्यो आपल्यो अश्यों काय म्हणी मेळनात. पुण जेन्ना तें राजापुर सावन गोंयांत येवुन स्थायीक जालें तेन्ना सावन त्योंच म्हणी वापरूक लागलें ज्यो तें राजापुर आसतना वापरातलें. ह्यो म्हणी मालवणी बोलयेत आसल्यो अशी म्हायती ताचें कडच्यान मेळटा. तातूंतल्योच म्हणी सकयल दिल्यात.

- खिशांत नाय दमडी आणि खावची हा कोंबडी
- गांवता फुकट भाकरी तर कित्याक करू चाकरी
- जेच्या खिशांत आणो तो म्हणता मीच शाणो
- कायच नाय कळाक- बोको गेलो म्हाळाक
- कोन नाय कोनचा न वरण भात लोणचा
- जित्या जीवाक नाय कांदो, मड्याक मात्र खांदो
- अंधारांत केला पण उजेडात इला

- अडाणी बायलेशी पडली गाठ, म्हणता ऊठ मेल्या चटणी वाट
- अमवासेचो जल्म, आणि तसलाच कर्म
- अरदो मिरग सारण गेलो आणि म्हारणीच्या झिलान उतव बांदलो
- अहिल्या, मंदोदरी, सीता, तारा, भुतूर आमचां गोदलां सारा
- कश्ट करून खा, कश्ट करून फुडें जा
- आकडता बापडा, सात माझी कापडा
- आयत्यार कोयत्ये
- आळशी उटाक आनी शिमरा शिंकाक
- इतभर तौसा नी हातभर बी
- कुल्यापाटी आरी नी चांभार पोरांक मारी
- कोणाच्यो म्हशी नी कोणाक उठा बशी
- खळ्यांत मुतलला आनी जावयाक घातलला सारख्याच
- खांद्यार बसयलो तर कानांत मुतता
- गावला तेचा फावला
- देवाक टाकून कुल मासे हाडूक आवाट गुल
- खुला भांडता वझरा वांगडा
- आंधळा दळता आनी कुत्रा खाता
- सांगल्यापेक्षा केल्लां बरां, कपाळ आपटून मेल्लां बरां
- होळयेक पोळी आणि शिमग्याक गाळी
- वेताळाक नाय बायल, भामकायक नाय घोव

- असेल त्या दिवशी दिवाळी, नसेल त्या दिसा शिमगा
- सात पांच रंभा नी पाण्याचा नाय थेंबा
- सरकारी काम, तीन म्हयने थांब
- आकडता बापडा, सात माझी कापडा
- एक कानार पगडी आणि घराक बाईल उघडी
- हयरातय नाय नी माशातय नाय
- आवस रडता रोवाक आणि चेडू रडता घोवाक
- येळार येळ नी, शिगम्यार खेळ
- बायल झाली सरपंच, वार्यार उडालो परपंच
- घरातं नाय अनपाणी, नी म्हणता मिया राजाची राणी
- जेच्या मनांत पाप, तेका पोरा होतीत आपोआप
- कुल्यापाटी आरी नी चांभार पोरांक मारी
- मेल्या तुझ्या वाटेवर डोळे लावून बसलंय, ह्यो खोटो पैसो बघांन घे मी कनवटीक लावलंय
- फटकी इंली तुझ्यावर तूं खय उलतलां होता, मागच्या वेळेस तुझो म्होरो खय भी दिसलो नव्हता.

**4.4 खारवी लोकाच्यो गाळ**

दर एक समाजांत आपल्यो अश्यों काय गाळ्यो आसात. ज्यो गाळ्यो मनीस एका मेका मारतना दिश्टी पडटात. चडश्यो ह्यों गाळ्यो मनीस वांगडा एकमेकाक सवतना

दिश्टी पडटात. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी समाजाच्यो गाळ्यो सकयल दिल्यात. ज्यों गाळयो तें एकामेका नुस्तें धरपाक वतना सवतात. चडश्यो गाळ ज्यों हांवें सकयल माडल्यात तें आमका स्त्री संबदीत दिश्टी पडटात. जें बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले दादले खारवी मारतना दिश्टी पडटात. पूण हें खारवी ह्यो गाळ्यो नुस्तें धरतना उमेद आनी उर्बा वाडोवपाक एकामेकाक सवतात.

**चेडयाच्या**- चेडयच्या ही गाळी गोंयात अशींच सवतना आमका दिश्टी पडटात. जशें बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांचे खारवी लोक एकामेकाक मारतात तशेंच ही गाळ गोंयच्या समाजान चलता.

**पोटनेच्या-** बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांचे लोक हें गाळ्येक एकामेकाक मारतात. तशेंच गोंयांत आमका **पोटनेच्या** ह्या गाळेक **पोटाच्या** अशें म्हणटात.

**अवशीक झवऱ्या-** बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक **अवशीक झवऱ्या** म्हणटात तशेंच गोंयच्या समाजान **आवय झवण्या** अशें म्हणटात.

**भयनीक झवऱ्या**- जसो खारवी लोक ही गाळ **भयनीक झवर्या** अशें एकामेकाक सवतात तशेंच गोंयचे लोक हेच गाळेक **भयनीक झवण्या** अशे म्हणटात.

**राडग्याच्या-** गोंयच्या समाजान हें गाळेक राडग्याच्या आसा थंय **राडेंचा** अशे म्हूण एकामेकाक सवतना दिश्टी पडटात.

**झवकुरा-** गोंयच्या समाजान हें गाळेक **झवकुरा** आसा ताका **झवऱ्या** अशे म्हणटात.

सकयल ज्यो गाळ्यो माडल्यात त्यों बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी आनी पेडणें वाठारातलें काय लोक सोडलें जाल्यार गोंयच्या समाजान ह्यो गाळ्यो कोण मारीनात.

झोव आज्याक, झोव बाबाक, बागझवरो, कॅलदा, पॉटण्या, बाबाकझवणी मामूंकझवऱ्या, सवतीचा, पोटझवनेचा, कुत्र्याकास्ताचा, लोडू, हलकटमारी, बोसडिच्या, येड झव्या, रंडगिच्या.

## 4.5 हेर उतरावळ

### खारवी समाजाच्या उलोवपी वाक्यांत बदल

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोकाचें बोली आनी प्रमाण कोंकणी उलोवपी लोका मदी आमका काय फरक दिश्टी पडटा. जशे आमका काय कडे एका शब्दा भितर फरक दिश्टी पडटा जाल्यार काय कडे एका उतरा भितर जाल्यार पुराय वाक्या भितर बदल जालों पळोवक मेळटा. देखीक प्रमाण कोंकणी आमी **च्या पिलो** म्हणटात तेन्ना खारवी लोक तांच्या बोलयेत **च्याव** पिलो अशें म्हणटात. हांगा आमका शब्दांत बदल जालो दिश्टी पडटा. तशेंच आमका उतरांत बदल जाल्लो दिश्टी पडटा. देखीक जेन्ना प्रमाण कोंकणीन **खंय पडलो** म्हणटात तेन्ना खारवी लोक तांच्या बोलयेंत **तुमी खंय पडलास** अशें म्हणटात. हांगां आमका **पडलें** आनी **पडलास** अशें मदी जालो फरक दिश्टी पडटा. जाल्यार आमका वाक्यांत लेगीत जालो बदल दिश्टी पडटा. देखीक जेन्ना आमी प्रमाण कोंकणीन **कितलें मेरेन शिकलो** म्हणटात तेंच वाक्याक खारवी लोक **कितको पसून शिकलो** अशें म्हणटात.

हागां आमका वाक्यात जालो फरक दिश्टी पडटा. अशे तरेन आमका प्रमाण कोंकणी आनी खारवी समाजाची बोले भितर फरक दिश्टी पडटा.

आमका आनीक काय भाशीक फरक बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतल्या खारवी आनी प्रमाण कोंकणी जालो दिश्टी पडटा. देखीक जेन्ना प्रमाण बोलीन आमी **हांव काल सोरो पितालो** अशें म्हणटात तेन्ना खारवी लोक **मी काल सोरो पित होतय** अशें म्हणटात हांगा आमका **हांव** आनी **मी** आचो फरक दिश्टी पडटा. तशेंच जेन्ना आमी प्रमाण कोंकणीत **फुडच्यां म्हन्यांत आमी** वचुया म्हणटात तेन्ना खारवी लोक **फुडल्या म्हन्यात आमी जावुया** म्हणटात. हांगा आमका **वचुया** आनी **जावूया** हो फरक भाशेनी जालो दिश्टी पडटा. तशेंच जेन्ना आमी प्रमाण कोंकणीत **अशें कर** म्हणटात तेन्ना बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतले खारवी लोक तांच्या बोलयेत **असा कर** अशें म्हणटात. हांगा आमका **अशें** आनी **असा** हाचो फरक दिश्टी पडटा. अशें तरेन आमका प्रमाण कोंकणी आनी खारवी समाजाच्या बोलयेत जालों पळोवक मेळटा.

**सुमार 100 वाक्या वापरून तांचो आनी प्रमाण भाशेंतलो फरक कितें ते दाखयला-**

| **प्रमाण कोंकणी** | **खारवी समाजाची बोली** |
|---|---|
| च्या पिलो ? | च्याव पिलो |
| तुमी खंय पडलें ? | तुमी खंय पडलास |
| कितलें मेरेन शिकलें ? | कितको पसून शिकलो |
| काल सगळीं खंय गेली ? | काल सगळी खुंय गेली |

| | |
|---|---|
| परवा तुमी येतले ? | परवा तुमी येतलास |
| फुडच्यां म्हन्यात आमी वचुया ? | फुडल्या म्हन्यात आमी जावूया |
| गांवांत उदक येवपाचें बंद जाले. | गांवांत पाणी कस येवच बंद जाल |

| | |
|---|---|
| काका तुमी फुडल्यां वर्सा खंय वतलें ? | काका तुमै फुडल्या वर्सा खुंय जातले |
| वेळ्ळी गांवांत काल एकट्याक मारलो. | वेल्ली काल एकट्याक मालों |
| आयज जेवण कितें केला ? | आयज जेवणाक काय केलस |
| नाश्टेक किते आयज ? | चाय कडे काय केलय |
| काल ताचो अपघात जालो. | काल ताका अकॅस्डीत जालो |
| बाय तूं काल खंय गेल्ले ? | बाये तूं काल खुंय गेल्ले |
| बाबा काल बाजारांत गेल्लो. | बाबा काल बाजारात गेलय |
| आवयन पुताक मारलो. | आईन जिलाक मारलो |

| | |
|---|---|
| मम्मी म्हाका उदक हाडून दिता. | आई म्हाका पाणी हाडून दितय |
| तूं कोणाक सांगता हें सगळें ? | तूं कोणाक सागतंय ह्या सगळे |
| मामा काल येवपाचो आसलो. | मामा काल येवचो होतो |
| मामी खंय आसली इतले दीस. | मामी खंय होतय इतके दिस |

| | |
|---|---|
| तो भायर पडलो. | तो मेलो |
| नुस्त्यांक आयज किते आसा ? | कडयेक आयज काय आसा |
| आयज कितें जेवण केला. | आज जेवण कसला केलय |

| | |
|---|---|
| पावसा दिसान चड नुस्तें मेळना. | पावस दिसान नुस्तें खुब मेळनानाय |
| गरमी खूब वाडल्या. | गरमी खूब वाडली |
| म्हाका जोर येला. | म्हाका जोर येलय |
| हांव काल सोरो पितालो. | मी काल सोरो पित होतय |
| फाल्या नुस्तें मारपाक गेल्यार बरें. | फाल्या काटाळें गेल्यार बरों |
| सर काल तुमी वचपाचे आसले नी. | गुरूजी तुमी काल जावचे होतय |
| आवाज चड करनाका. | आवाज खूब करूं नको |
| म्हाका त्रास जाता. | म्हाका त्रास जातत |

| | |
|---|---|
| पोटात दुकता कशे जाता. | पोटाक दुकता कस दिसता |
| काल सोपना वयल्यान पडलो हांव. | काल पावड्यां वरसून पडलय |
| वायट सपन पडलें काल. | वायट सपन पडला काल |
| वाटेर वतना ताका भूत दिसलो. | जाताना तेका वाटेत भूत दिसलो |
| हांगा यो. | हुंय यें |

| | |
|---|---|
| थंय वच. | थुंय जा |
| अशें कर. | असा कर |
| तशें करनाक. | तसा करू नको |

| | |
|---|---|
| वयर चड. | वयर जा |
| सकयल पडटलो साबाळून. | सकयल पडटालय साबाळून |
| म्हाका नाका तुजें कडे उलोवपाक. | म्हाका तुजे कडे बोलाक नको |
| तूं तूजें पळोवन गें. | तूं तूजा बग |
| म्हाका सागपाची गरज ना. | म्हाका सागूं नको |
| तूं कोण म्हाका सागपी. | तूं कोण म्हाका सागूं |
| तुमचो आवाज तूमचें कडे दवरात. | तूं सागतय तों तुज्या कडें दवर |
| हांव तुमचें आयकूण घेवपी ना. | मी तूजा आयकाचय ना |

| | |
|---|---|
| तूका जाय तें तूं कर. | तूका होया तूं कर |
| कित्याक तापता ताचेर. | कित्याक तापतय त्याचार |
| सदांच हासपाक जाय. | सदांच हासक होया |
| रडूंन काय जावपाचे ना. | रडान कायच जावच ना |
| तूं चल फूडें. | तूं जा फुडें |
| देववळान आवाज करनाका. | देवळान आवाज करू नाकास |

| | |
|---|---|
| थंय कोण पडलो. | थूंय कोण पडलो |
| तूका जाप दिवपाची गरज ना. | तूं बोलाची गरज ना |

| | |
|---|---|
| तूं कोण उलोवपी आमच्या भितर. | तूं कोण सागूंक आमका |
| मेहनत करात आनी मुखार सरात. | कश्ट करून खा कश्ट करून फुडें जा |
| म्हाका कितें कमी समजला. | म्हाका काय कमी समजता |
| टिचरीन ताका आपयला फाल्या. | बायीन तेका फाल्या बलयलो |
| काल कितें जालें. | काल काय जाल |
| भावोजी काल येवपाचो आसलो. | भावजी काल येवचो होतो |
| चाची तूं येता फाल्या भोवंक. | काकी तूं येतय फाल्या भोवंक |
| फाल्या मेच आसा. | फाल्या गेम आसा |

| | |
|---|---|
| शिकपाक बस. | शिकंक बस |
| वेळ काडून काम कर. | वेळ काड आनी काम कर |
| चूक करनाका. | चूक करूनको |
| खरें आसा तें सांग. | खरा आसय ता सांग |
| बरों करून. | बरें करून |
| सगळ्यांक विचारले सांग. | सगळ्यांक विचालय म्हूणान सांग |

| | |
|---|---|
| देव बरें करूं. | देव बरा करूं |
| कित्याक फंटीग उलयता. | कित्याक फंटीग बोलताय |

| | |
|---|---|
| सामके आसा तें. | खरा आसा ता |
| चितूंन उलय. | चितून बग |
| आपणाक जाय तशें कर. | तूका ह्या तसा कर |
| पिचर खंय लागला. | पिचर खूंय लागला |
| कित्याक मारलो ताका. | कित्याक मारलो तेका |
| गाळी मारनाका. | गाळी मारूनको |
| साबाळून चल. | सवकास चल |
| फातराक पळोवन चल. | फातराक बगून चल |

| | |
|---|---|
| वाना कित्याक घालूना. | जोती कित्याक घालूक नाय |
| शेतात भात पिकल्यात. | शेत पिकला |
| दर्यात खूब नूस्तें आयज. | भायर नुस्तें खुब आयज |
| पोरसात किते पिकला. | भाटान किते पिकला |
| न्हावलो तूं. | न्हालय तूं |
| तुमी खंय गेलें. | तुमी खंय गेलों |
| तुमी कशें आसात. | तूं कसो आसाय |

| | |
|---|---|
| तूं येतले फाल्या. | तूं फाल्या येतलय |

| | |
|---|---|
| तुमी खंय आसात. | तूं खूंय आसय |
| कोणाक सागता हें सगळे. | कोणाक सागातय रें |
| काल हांव बाजारात गेले. | काल मी बाजारात गेल्ले |
| काल थंय कितें जालें. | काल थुंय किते जाला |
| तुमी येले. | तुमी येलय, तुमी येलास |
| अशें किते करता. | असो काय करता रें |
| हांव काल गेलो. | मी काल गेलो |
| तुमी येतात. | तूं येतय |

| | |
|---|---|
| काल वाड्यार एकटो भायर पडलो. | काल आमच्या वाड्यार एकटो मेलो |
| त्या दिसा आवयचे वायट घडलें. | त्या दिसा आईचे खूब वायट जाला |
| किते जाल्ले. | काय जाल |

**संदर्भ**

**मुलाखत**

1. नितेश गावकार, वयः33, ता. 1 ऑक्टबर 2023, बेतुल, गोंय.

2. सुदाकर जोशी, वयः65, ता. 1 ऑक्टबर 2023, बेतुल, गोंय.

3. विनय तारी, वय 45, ता. 25 दिसेंबर 2023, वेळ्ळी, गोंय.

4. विना कारदोजो, वय 55, ता. 12 जानेवारी 2024, वेळ्ळी, गोंय.

# प्रकरण- 05

## 5. निश्कर्श

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतलो खारवी समाजाचे लोक जरी राजापुर, रतनागिरी, पेडणें सावन येवून गोंयच्या बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत स्थायीक जाले तरीय ताच्यां जाण्ट्यानी हो वेवसाय मुखार व्हेल्लो दिश्टी पडटा. बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांत रावपी लोक हो पयली नुस्तेंमारी वेवसाय करतना दिश्टी पडटालो पूण आता ताचें काय लोक सरकारी नोकरी करतात जाल्यार काय लोक भायर वतना दिसतात. हो बदल ताच्यां वाठारांत आमका जाल्लो दिश्टी पडटा. अशें सागतात की सेंट फ्रासिस जेवियर हो काबो दे रामा किल्ल्या वयल्यान वेळ्ळी आयलो हांचे पुरावे खंयच मेळनात. ह्या दोनय वाठारांनी नुस्तेंमारी वेवसाय मुखार व्हरपाक सारक्यो सुवीदा ह्या लोकांक मेळना हांका लागून लोक आता हो वेवसाय कमी प्रमाणांत करतना दिसतात . तशेंच ताचें भुरगें हो वेवसाय करपाक फाटी सरतात आनी भायर वचपाक वा सरकारी नोकरी करतना दिश्टी पडटा.

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांतली लोकाची भास मालवणी आनी पेडणेंचे बोलयेंतल्यान भरसून तयार जाल्ली दिश्टी पडटा. तशेंच हें लोक जेन्ना ताच्यां लोकां कडेन उलयतात दिश्टी पडटात. जेन्ना एकादो प्रमाण भाशेंत वा दुसऱ्या बोलयेतं मनीस उलोवपी लोक ताचे कडे संवाद सादता वा ताकां ताचें बोलयेतं उलोवपाक लायता तेन्ना ते ती सोदनात तशेंच ताचें भुरगे ही भास उलय नासतना प्रमाण बोलीत उलोवंक लागल्यात हाका लागून ही बोली शेणत वचपाक लागल्या.

तशेंच बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्या खारवी लोकां कडेन थोडी अशी लोकवाद्यां सोडली जाल्यार आपली अशी लोकवाद्यां ना. जें कितें गोंयचे दुसरे लोक शिगम्याक वा कसल्या लोकनाचाक वाद्धां वापरतात तीच वाध्या हो समाज वापरतना दिश्टी पडटा. तशेंच आमका लोकगितां दिसतात खारवी समाजाकडेन थोडींच अशीं लोकगितां आसात जातूंत तें नुस्तें मारपाक वा जाळ काडपाक वतात तेन्ना वापरतात. ताच्यांकडे गणपति फुगडी, धालो गिता आदी लोकनाच ताच्या समाजाचें म्हूण ना, जें किते लोकगितां गोंयांत गणपती फुगडी आनी धालो गितां आसात तीच हो समाज वापरतात.

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांचे खारवी समाजाचे एक खाशेलेपण म्हणल्यार हो समाज नुस्तें धरून गोंयच्या दुसऱ्या वाठारांनी वा गोंया भायर धाडटा. गोंयचे सगळें खारवी समाज रावपी वाठांर काडले जाल्यार बेतुल सावन सगळ्यांत चड नुस्तें भायल्या राज्यानी धाडिल्ले दिश्टी पडटा. हाका लागून ह्या वाठारांचो खारवी समाज खूब म्हत्वाचो थारता.

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्या खारवी लोक जेन्ना शिगमो घालतात तेन्ना त्या गांवची एक वेगळीच अशी प्रता आसात जंय आमकां बायलां लेगीत शिगम्या गितां गायतना दिश्टी पडटात. हाचे फाटले कारण म्हणल्यार शिगम्याक लोका भितर उर्बा आनी उमेद हाडपाक गांवचे दादले बायलाक लोगगिता म्हणपाक मुखार व्हरतात. गोंयांत आमका शिगम्याक बायला शिगम्याची लोगगितां वा लोकनाच करतना दिसतात. ह्या समाजाक कडेन काय असल्योय लोकगितां आसात जी

स्त्रीविशी हें लोक हीं गितां मनोरजन आनी नुस्त्यां वतात तेन्ना जाळ्याक खूब नुस्तें लागतात तेन्ना तें जाळे बेगीन येवपाक जाय म्हूण उर्बा आनी उमेदीक लागून म्हणटात.

बेतुल आनी वेळ्ळी वाठारांच्या खारवी लोकाच्या जाण्टयानी आपली बोली राखून दवरल्या ती आमका तांच्या उतरावळीन, म्हणी, वाक्यांत उलयतना वा संवाद सादतना दिसून येता. जेन्ना तें नुस्तें मारपाक वतात तेन्ना तें कशे तरेन एकामेकाक गाळी मारून म्हणी वापरून उलयतात. पूण आमका तांच्या भुंरग्या भितर ही बोली राखून दवरतले अशें दिसना. म्हज्या मता प्रमाण काय वर्सा उपरांत ही बोली शेणतली तशेंच ह्या लोका कडेन आशिल्ली उतरा, लोकगिता, लोकनाच आदी सुदा शेणूक शकता. हाका लागून ह्या समाजाच्या जाण्टयांनी तांच्या भुंरग्या कडेन हें बोलयेन उलोवपाक जाय जाल्यार ही बोली तिगतली.

# 6. आदारावळ


## कोंकणी

1. वाज, डेनीस. कुडतरीचीं शेती उतरावळ. जाग, ताळगांव गोंय. 2009.
2. गावकार, आकाश. कर्नाटका राज्यांतलो सिद्दी समाजाचो प्रबंदीका, गोंय विद्यापीठ. 2023.
3. केणी, चंद्रकांत (Translated). भारतीय समाज. नवी दिल्लीः नॅशनल बूक टस्ट, 1999. गावकार, आकाश. कर्नाटका राज्यांतलो सिद्दी समाजाचो प्रबंदीका, गोंय विद्यापीठ. 2023.
4. वेरेंकार,श्याम. कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ विध्यानगर मडगांव गोंय,मार्च 2003.

## इंग्लिश

1. Nayar, Pramod, K. An Introduction to cultural Studies. Mumbai: Viva Books, 2018.
2. Pickering, Michael. Research Methods for Cultural Studies. Jaipur: Rawat Publications,2016.

## मुलाखत

1. नितेश गावकार, वयः33, ता. 1 ऑक्टबर 2023, बेतुल, गोंय.
2. सुदाकर जोशी, वयः65, ता. 1 ऑक्टबर 2023, बेतुल, गोंय.

3. विनय तारी, वय 45, ता. 25 दिसेंबर 2023, वेळ्ळी, गोंय.

4. विना कारदोजो, वय 55, ता. 12 जानेवारी 2024, वेळ्ळी, गोंय.

5. विकास जाधव,वय 33, ता. 3 फ्रेबुरवारी 2024,राजापूर, महाराष्ट्र

6. दिनू जोशी, वय 62, ता. 25 दिसेंबर 2023, वेळ्ळी, गोंय.

7. रवि जाधव, वय 35, ता. 25 फ्रेबुरवारी 2024, राजापूर,महाराष्ट्र

8. गोंविद तारी, वय 40, ता 1 मार्च 2024, बेतुल, गोंय

9. सुसमीशा जोशी, वय 49, ता 2 मार्च 2024, बेतुल, गोंयe

## वेबसायट्य

1. https://en.m.wikipedia.org

2. http://prashila9.weebly.com